अकादेमीन आपली साहित्य आनी भाशा सेवा पुरस्कार येवजण 2008 वर्सा सावन चालीक लायली आनी आजवेर तिनदां हे पुरस्कार भेटयले. पयल्या वर्सा हे पुरस्कार भेटोवपाची कार्यावळ 24 एप्रील 2008 दिसा सां. 5.30 वरांचेर कला अकादमीच्या मा. दिनानाथ मंगेशकर कला मंदीरांत जाली. नामनेचे विचारवंत आनी राष्ट्रीय किर्तिचे समालोचक प्रो. नामवर सिंह हे कार्यावळीचे मुखले अतिथी आशिल्ले. दुसऱ्या वर्सा ही कार्यावळ शेनवार ता 25 जुलै 2009 दिसा सांजे 5.00 वरांचेर रवींद्रभवन, मडगांव हांगा जाली. नामनेचे हिन्दी लेखक श्री. सुधीर कक्कर हे कार्यावळीक मुखेल अतिथी आशिल्ले, तर तिसऱ्या वर्सा ही कार्यावळ सोमार ता. 1 नोवेंब्र 2010 दिसा, कला अकादमीच्या ब्लॅक बॉक्सांत सांजे 5.30 वरांचेर जाली. नामनेची हिन्दी साहित्यीक श्रीमती पुष्पा भारती हे कार्यावळीची मुखेल अतिथी आशिल्ली. पयल्या दोन पुरस्कार वितरण सुवाळ्याचें अध्यक्षपद गोंय राज्याचे मुखेल मंत्री भौ. दिगंबर कामत हांणी भुशयलें.

पुरस्कार विजेते फुडले प्रमाण आसात:

## 2008

### अ. सवोत्कृष्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार (प्रत्येकी रू. 10,000/-)

| | |
|---|---|
| 1. श्रीमती ग्वादालूप डायस | (कविता - भूंयफोड) |
| 2. श्री. तुकाराम शेट | (कथा - धर्तरेचो स्पर्श) |
| 3. श्री. मार्कुस गोन्साल्वीस | (एकांकी - संघर्श) |
| 4. श्री. प्रकाश पर्येकार | (निबंद - दवरणें) |
| 5. श्रीमती शकुंतला भरणे | (शास्त्रीय - नादब्रह्म) |
| 6. कु. स्नेहा संजीव वेरेंकार | (बालसाहित्य -सवणें उडटना रू. 5000/-) |

### आ. भाशा - सेवा पुरस्कार

### क. युवाचैतन्य पुरस्कार (प्रत्येकी रू. 15,000/-)

1. श्री. पुर्णानंद च्यारी
2. श्री. लुईस अँथनी रोड्रीग्स

### ख. साहित्य प्रतिभा पुरस्कार (रू. 25,000/-)

1. श्री. रवींद्र केळेकार

### ग. साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार (रू. 25,000/-)

डॉ. मॅथ्यू आल्मैद, एस्. जे.

### घ. शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा-सेवा पुरस्कार (रू. 25,000/-)

ॲड. उदय भेंब्रे

### ङ. माधव मंजुनाथ कोंकणी भाशा-सेवा पुरस्कार (रू. 25,000/-)

श्री. के. के. पै

### च. कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार (रू. 25,000/-)

कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय

## 2009

### अ) सर्वोत्कृष्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार (प्रत्येकी रू. 10,000/-)

| | |
|---|---|
| 1. श्री निलबा खांडेकार | (कविता - ब्लॅक) |
| 2. श्री. रामनाथ गावडे | (कथा - उतळजीण) |
| 3. श्री राजय पवार | (नाटक - आमचो हात जगन्नाथ) |
| 4. श्री मुकेश थळी | (निबंद - हंसध्वनी) |
| 5. डॉ. बाळकृष्णजी कानोळकार | (समिक्षा - क्षः समिक्षेंतलो) |
| 6. श्री. गजानन जोग | (बालसाहित्य - वर्स फुकट वचूंक ना रू. 5000/-) |

### आ) भाशा- सेवा पुरस्कार

**क. युवाचैतन्य पुरस्कार (प्रत्येक रू. 15,000/-)**

1. श्री. आग्नेल (द बोरी) फेर्नांडीस
2. श्री. राजदीप नायक

**ख. साहित्य प्रतिभा पुरस्कार (रू. 25,000/-)**

श्री. नागेश करमली

**ग. साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार (रू. 25,000/-)**

श्री. सुरेश जयवंत बोरकार

**घ. शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा-सेवा पुरस्कार (रू. 25,000/-)**

श्री. बाबली नायक

**ङ. माधव मंजुनाथ शानभाग कोंकणी भाशा-सेवा पुरस्कार (रू 25,000/-)**

श्री. जे. बी. मोरायश

**च. कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार (रू. 25,000/-)**

कोंकणी कला आनी साहित्य केंद्र, कुडचडें

# 2010

## अ) सर्वोत्कृष्ट कोंकणी साहित्य/ग्रंथ पुरस्कार (प्रत्येकी रू. 10,000/-)

| | |
|---|---|
| 1. श्रीमती मंगला कारापुरकार | (कविता - उत्सव) |
| 2. श्रीमती माया खरंगटे | (कथा - मृगजळ) |
| 3. श्री. हनुमंत चोपडेकार | (नाटक - कुंवाडीं ) |
| 4. जॉन एम्. आल्फोन्सो - कार्मेलायट | (निबंद - जिणेची वाड) |
| 5. श्री. श्रीधर केशव बर्वे | (शास्त्रीय - तबलें) |
| 6. श्रीमती रत्नमाला दिवकार | (बालसाहित्य - गिरमीट रू. 5000/-) |

## आ. भाशा- सेवा पुरस्कार

### क. युवाचैतन्य पुरस्कार (प्रत्येक रू. 15,000/-)

1. श्रीमती स्वाती नायक
2. श्री. कॉज्मा फेर्नांदीश

### ख. साहित्य प्रतिभा पुरस्कार (रू. 25,000/-)

श्री. रमेश वेळुस्कार

### ग. साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार (रू. 25,000/-)

डॉ. तानाजी हळर्णकार

### घ. शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा-सेवा पुरस्कार (रू. 25,000/-)

श्री. सुहास दलाल

### ङ. माधव मंजुनाथ शानभाग कोंकणी भाशा-सेवा पुरस्कार (रू 25,000/-)

श्री. एन्. पुरूषोत्तम मल्ल्या

### च. कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार (रू. 25,000/-)

बार्देस कोंकणी अस्मिताय केंद्र, म्हापशें

## ग. साहित्यीक भोवंडी:

साहित्यीकांक मेकळ्या वातावरणांत, निसर्गाच्या सान्निध्यांत व्हरून तांची प्रतिभा जागोवपी एक कार्यावळ अकादेमीन 9-12-1990 दिसा बोंडला अभयारण्यांत घडोवन हाडली. सुमार 50 लेखकांक हे साहित्य भोवंडेंत अकादेमीन आस्पावन घेतले. मजगती ह्या उपक्रमांत खंड पडलो. परत अशी साहित्य भोवंडी अकादेमीन 29 मार्च 2009 दिसा सहकारी स्पायस फार्म, बेतोडें हांगां घडोवन हाडली. दिसभराचे हे भोवंडेंत सुमार 60 साहित्यीकांनी वांटो घेतलो. हे मदीं प्रस्थापीत, प्रथीतयश तशेंच नवोदीत बरोवपीय आशिल्ले.

## घ. साहित्य परिसंवाद आनी परिचर्चा- शिबिरां

साहित्य विभागाखाला अकादेमीन सगळ्यांत चड परिसंवाद आनी परिचर्चा आयोजीत केल्यात, हे मदीं फुडल्यो कांय कार्यावळी मुजरत उल्लेख करपासारक्यो आसात:

### I. साहित्य सप्तक:

25 मार्च ते 31 मार्च 1992 मेरेन साहित्याच्या वेग-वेगळ्या आंगाचेर चर्चा करपाची पुराय सप्तक भराची एक कार्यावळ शिक्षक भवन, फोंडें हांगा अकादेमीन घडोवन हाडली. सात दिसांचे हे कार्यावळींत सुमार 50 बरोवप्यांनी दर दिसा वांटो घेतलो. वट्ट सात जाणकारांनी हातूंत पेपर मांडले. उपरांत तांतल्या वेंचीक तीन निबंदांचें 'तीन सोद-निबंद' हें संकलन 1996 वर्सा अकादेमीन उजवाडाक हाडलें.

### II. साहित्य शिल्प:

जून-जुलै 1992 ह्या म्हयन्यांत दर शेनवार-आयताराक राबित्याचें शिबीर आयोजीत करून कथा, कविता, निबंद, अणकार आनी नाटक ह्या विशयांचेर जाणकारां कडल्यान नवोदीत बरोप्यांक अकादेमीन मार्गदर्शन केलें. दर शिबीराक सुमार 50 बरोवपी वांटेकार जाताले. ह्या शिबिरांतल्या व्याख्यानांचें उपरांत 'साहित्य-शिल्प' हें पुस्तक अकादेमीन 1995 वर्सा उजवाडाक हाडलें.

III. कथा, कविता, नाटक, निबंद, अणकार, पत्रकारीता अशा विशयांचेर अकादेमीन साबार शिबिरां घडोवन हाडल्यांत.

IV. डॉ. यु. आर. अनंत मुर्ती, प्रा. इंद्रनाथ चौधरी, श्री. कमलेश्वर, श्री. जी. एन्. हक्सर, डॉ. सुमतीं नाडींग, डॉ. गंगाधर मोरजे, डॉ. बाळकृष्ण सोंदे, डॉ. जयंत नारळीकार, श्री. प्रभाकर कारेकार, प्र

चंद्रशेखर पाटील, श्रीमती प्रेमा पुरव, अशा नामनेच्या साहित्यीक – विद्वानांक, कलाकारांक खास आमंत्रीत करून तांचे कडेन वार्तालापाच्यो आनी चर्चेच्यो साबार कार्यावळी अकादेमीन फाटल्या 25 वर्सांत घडोवन हाडल्यात.

V. बायलांखातीर खाशेले मेळावे अकादेमीन आयोजीत केल्यांत.

VI. शणै गोंयाबाब 125 व्या जयंती वर्सा निमतान 2003 वर्सा आनी 2009-10 वर्सा बाकीबाब जल्मशताब्दी वर्सा निमतान खाशेल्यो कार्यावळी अकादेमीन आयोजीत केल्यात.

VII. फाटल्या साबार वर्सांसावन अ. भारतीय कोंकणी परिशदेच्या संमेलनाचे वा अधिवेशनाचे स्मरणिकेखातीर अकादेमीन पयशांचे तजविजेप्रमाण जायराती दिल्यात.

# 2. शिक्षण विभाग

ह्या विभागाखाला अकादेमीन फुडले उपक्रम आजवेर राबल्यात:

अ. शिक्षणीक कृतिसत्रां आयोजीत करपाची खाशेली येवजण 2006-2007 वर्सा अकादेमीन सुरू केली आनी आजवेर अकादेमीन सुमार 32 कृतिसत्रां आयोजीत केल्यांत. तांचो तपशील असो:

| क्र. | संस्थेचें नांव | कृतिसत्राचो विशय |
|---|---|---|
| | | **2006 - 2007** |
| 1. | दामोदर हायर सेकंडरी, *मडगांव* | कोंकणी पाठ बरोवप्याकडेन संवाद |
| 2. | शांतादुर्गा हायर सेकंडरी, *दिवचल* | कोंकणी व्याकरण: धावी, अकरावी आनी बारावी |
| 3. | बांदिवडे कलावृक्ष, *बांदिवडे* | अभंग आनी आरती लेखन |
| 4. | मलिकार्जुन कॉलेज, *काणकोण* | कोंकणी कथा |
| 5. | बार्देश कोंकणी अस्मिताय केंद्र, *बार्देस* | कोंकणी व्याकरण |
| 6. | वंदना प्रॉडक्शन, *बोरी* | शिक्षण आनी तियात्र |
| 7. | लिटररी अन्ड कल्चरल असोसिएशन ऑफ रायतूर, *रायतूर* | आमचें दायज: मोंसिनियर दाल्गाद हांचे योगदान |

| | |
|---|---|
| 8. बार्देकार कॉलेज, *आसगांव* | शिक्षण |
| 9. पॅरिश पास्टोरल कॉन्सील, *माजोड्डें* | तियात्र |

## 2007 - 2008

| | |
|---|---|
| 10. शांतादुर्गा हायर सेकंडरी, *दिवचल* | कोंकणी व्याकरण भाग-दुसरो *(शिक्षकां खात* |
| 11. एम्. ई. एस्., *जुवारीनगरी* | साहित्याचो इतिहास |
| 12. दामोदर हायर सेकंडरी, *मडगांव* | काव्यशास्त्र |
| 13. श्रृश्टी प्रकाशन, *सांखळी* | दिवचल सत्तरी म्हालांतली कोंकणी चळवळ |
| 14. गोंय कोंकणी शिक्षक मंच | कोंकणी शिक्षण |
| 15. गोंय कोंकणी शिक्षक मंच | कोंकणी शिक्षण |
| 16. गोंय कोंकणी शिक्षक मंच | कोंकणी शिक्षण |
| 17. बार्देश अस्मिताय केंद्र, *म्हापशें* | कोंकणी शिक्षण |
| 18. कोंकणी सरस्पत, *गोंय विद्यापीठ* | साहित्य सृजन |
| 19. कोंकणी माची मोगी, *सांगें* | तियात्र लेखन |
| 20. श्री. मल्लिकार्जुन कॉलेज, *काणकोण* | शिक्षणीक कृतिसत्र |

## 2008 - 2009

| | |
|---|---|
| 21. सांखळी कोंकणी सेवा केंद्र, *सांखळी* | कोंकणी शिक्षण: शिक्षकांखातीर परिसंवाद |
| 22. गोवा कोंकणी सांस्कृतिक मंडळ, *कुठ्ठाळी* | कोंकणी आमंत्रण पत्रिका: आनी कोंकणी म |
| 23. सिद्धार्थ बांदोडकार हायर सेकंडरी स्कूल, *वेळगें* | सूत्र संचालन |
| 24. गोवा कोंकणीअकादेमी आयोजीत शिबीर, *पणजी* | कोंकणी शिक्षकांखातीर बाराखडी विकासनाच्यो |
| 25. फा. फ्रेडी डिकॉस्ता मेमोरियल ट्रस्ट, *मडगांव* | कथा लेखन |
| 26. मधुसुदन कुशे हायर सेकंडरी, *म्हापशें* | शिक्षणीक परिसंवाद |
| 27. शांतादुर्गा हायर सेकंडरी स्कूल, *दिवचल* | धावी, अकरावी आनी बारावेच्या विद्यार्थ्यां शिकोवपाचें कौशल्य. |

## 2009 - 2010

| | |
|---|---|
| 28. रायतूर सेमिनारी, *रायतूर* | आमचें दायज |
| 29. अखिल भारतीय कोंकणी परिशद, *दिवचल* | शिक्षणिक शिबीर |
| 30. सरकारी म्हाविद्यालय, केपें | कोंकणी कादंबरी: अभ्यास क्रमाच्या संदर्भांत |

| | | |
|---|---|---|
| 31. | श्रीमती नेली जोयडो अगियार, हायर सेंकडरी स्कूल, फर्मागुडी | साहित्य अविश्कार |
| 32. | बांदिवडे कलावृक्ष, बांदिवडे, बंदर, फोंडें | सुत्रसंचालन |

**आ.** शिक्षणीक विशयाचेर कांय परिसंवाद, अकादेमीन घडोवन हाडल्यात. ते मदलो 3 ऑक्टोबर 2004 दिसा सांजे 3.00 वरांचेर विद्याप्रसारक मंडळ, फोंडें हांगा आयोजीत केल्लो 'बाल शिक्षण: स्वरूप आनी पद्धती' हो उल्लेखनीय आसा. महाराष्ट्रांतले नामनेचे बालशिक्षण तज्ञ श्री. रमेश पानसे हांणी ह्या परिसंवादांत विशय मांडपी उलोवप केल्लें.

**इ. तक्ते प्रकाशनां:** 'अक्षर रचना', 'अक्षर वळख' आनी 'फळां' अशे तीन तक्ते विद्यार्थ्यांक शिक्षणीक साधनां उपलब्ध करून दिवपाच्या हावेसान अकादेमीन 1991-92 वर्सा उजवाडायल्यात.

## ई. शिक्षणीक विशयावयलीं फुडलीं पुस्तकां प्रकाशीत केल्यात:

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. कोंकणी भाशेचें अध्यापन | – | वसंत लवंदे | 1995 |
| 2. कोंकणींतल्यान पुर्व-प्रार्थमीक शिक्षण | – | सतीश दळवी | 2005 |
| 3. पर्यावरण गितां | – | तुकाराम शेट | 2006 |
| 4. कोंकणी ब्रेल लिपी | – | धनश्री जांबावलीकार | 2006 |
| 5. कोंकणी परिचय कोश | – | प्रियदर्शिनी तडकोडकार | 2006 |
| 6. आरोग्यं धनसंपदा | – | डॉ. आनंद हेळेकार | 2007 |
| 7. छूम छूम घुंगरी *(ब्रेल लिपी)* – लिपयांतर | – | धनश्री जांबावलीकार | 2008 |
| 8. स्टेथोस्कोप | – | डॉ. उमानाथ राताबोली | 2008 |
| 9. आमचो दोतोर | – | भिकाजी घाणेकार | 2009 |
| 10. कान भेड्डेपण आनी उपाय | – | डॉ. दिनेश खंवटे | 2009 |

(2008-2009 वर्सा अकादेमीन 'वनमहोत्सव' ह्या पुस्तकाची दुसरी आवृत्ती प्रकाशीत करूंक कोंकणी भाशा मंडळाक 50% अर्थीक पालव दिला.)

## उ. कोंकणी गिन्यानाचो दाखलो:

जे उमेदवार आपल्या अभ्यासक्रमांत कोंकणी विशय शिकिल्ले नात पूण जांकां नोकरेखातीर कोंकणी

भास जाणा आशिल्ल्याच्या दाखल्याची गरज आसा, तांचेखातीर 1997 वर्सासावन अकादेमीन 'कोंकणी गिन्यानाचो दाखलो' दिवंक सुरवात केली. हो दाखलो तांकां अकादेमी तांची कोंकणी विशयाच्या गिन्यानाची चांचणी घेवन दिताली. उपरांत सरकाराच्या कार्मीक विभागाच्या 1/49/76/PER/(Pt.I) क्रमांकाच्या आनी 30/10/2008 तारखेच्या परिपत्रकाक धरून अकादेमीच्या वावुरपी मंडळान हो दाखलो दिवपाचें बंद करपाची थारावणी घेतली. सुमार 2000 उमेदवारांक अकादेमीन गिन्यानाचे दाखले भेटयिल्ले आसात.

## ऊ. कोंकणी प्रमाणपत्र परिक्षाः

2002-2003 अर्थीक वर्सासावन अकादेमीन प्रारंभ, प्रवेश, परिचय आनी प्रवीण अशा चार पावंड्याचेर प्रमाणपत्र परिक्षा घेवंक सुरवात केली. पयली परिक्षा 8,9, आनी 10 नोव्हेंबर 2002 ह्या दिसा भाटीकार मॉडेल हायस्कूल, मडगांव आनी पिपल्स हायस्कूल, पणजी अशा दोन केंद्रांनी जाली.

2009 वर्सासावन अकादेमीन 'प्रज्ञा' आनी 'पारंगत' ह्यो आनीक दोन परिक्षा चालीक लायल्यो. आजवेर अकादेमीन चार वेळा प्रमाणपत्र परिक्षा घेतल्यो. हे परिक्षेक फुडलेप्रमाण उमेदवार उत्तीर्ण जाले:

| क्र. | परिक्षेचें नांव | 2002-03 | 2003-04 | 2004-05 | 2005-06 | 2008-09 | 2009-10 |
|---|---|---|---|---|---|---|---|
| 1. | प्रारंभ | 5 | 42 | 50 | 94 | 32 | 47 |
| 2. | प्रवेश | 2 | 117 | 155 | 161 | 37 | 51 |
| 3. | परिचय | 2 | 101 | 72 | 117 | 151 | 88 |
| 4. | प्रविण | 4 | 5 | 12 | 13 | 17 | 33 |
| 5. | प्रज्ञा | - | - | - | - | 6 | 8 |
| 6. | पारंगत | - | - | - | - | - | 1 |

## ए. शिक्षणीक शिशयवृत्त्योः

2006 - 2007 वर्सा सावन अकादेमीन शिक्षणीक शिशयवृत्त्यो दिवपाची येवजण चालीक लायर्ल आनी बी.ए. (रू. 7000/-) एम्. ए. (रू. 8,000/-) आनी पीएच्.डी. (रू. 10,000/-) अशा ती पावंड्यांचेर शिशयवृत्त्यो दिवंक सुरवात केली.

आजवेर अकादेमीन फुडले प्रमाण विद्यार्थ्यांक शिशयवृत्त्यो भेटयल्यात:

**2006 - 2007**

**बी.ए. पावंडो**

1. श्री. रॉकी कार्दोज

2. कु. आश्विनी मोरजकार
3. कु. सपना कुडव
4. कु. आरती बोरकार

### एम्. ए. पावंडो

1. कु. स्वरुपा दिनेश नायक
2. कु. इशा सातार्डेकार
3. कु. माया मोरजकार
4. कु. कृपाली नायक

### पीएच्. डी. पावंडो

1. श्रीमती ज्योती रामदास देसाय
2. श्री. प्रकाश नायक

## 2007 - 2008

### बी.ए. पावंडो

1. कु. श्वेथा सी. आफोन्सो
2. कु. प्रियांका प्रभाकर परब
3. कु. शालिनी प्रदीप
4. कु. श्रेया गुरूदास प्रभू
5. श्री. वाझ डेनीस
6. कु. श्रद्धा गरड

### एम.ए. पावंडो

1. कु. सपना कुडव
2. श्री. दर्शन कामत
3. कु. सोनिया चंद्रकांत नाईक
4. श्री. प्रेमानंद विष्णू सतरकार
5. कु. कृपाली नायक
6. श्री. नरेश च. नायक

## पीएच्. डी. पावंडो

1. श्री. प्रकाश ना. नायक
2. कु. ज्योती रामदास देसाय

## 2008 - 2009

## बी.ए. पावंडो

1. कु. प्रिया प्रशांत कारे
2. कु. भक्ती श्रीकांत मळकर्णेकार
3. कु. दिपाली देविदास नाईक

## एम.ए. पावंडो

1. कु. प्रियांका प्र. परब
2. कु. अर्चना रत्नाकर देसाय
3. कु. लीना गणेश पर्येकार
4. कु. विदिता शेट
5. कु. अक्षता हळर्णकार
6. कु. श्रद्धा गरड
7. कु. जेनेट डिसौझा

## पीएच्. डी. पावंडो

1. श्री. प्रकाश नायक

## 2009 - 2010

## बी.ए. पावंडो

1. कु. श्वेथा आफोन्सो
2. श्री. रोमन रोड्रीगीश

## एम्.ए. पावंडो

1. श्री. डॅनीस वाझ
2. कु. स्नेहा सावंत
3. श्री. नारायण चंद्रकांत नायक

4. कु. नम्रता मोपकार
5. कु. सिद्धी गांवस
6. कु. ललीता गुंडू नायक
7. श्री. सिल्वेस्टर वाझ

ऐ. **'पाठ्यलेखक विद्यार्थ्यांचे भेटेक'** आनी **'विद्यार्थी पाठ्यलेखकांचे भेटेक'** हो उपक्रमय अकादेमीन राबयला. आनी फुडल्या शाळांक आजवेर ह्या उपक्रमाखाला कार्यावळी घडोवन हाडूंक अर्थीक पालव दिला:

| क्र. संस्थेचें नांव | कार्यावळ | तारीख |
|---|---|---|
| 1. हॉली क्रॉस हायस्कूल, *शिवोली* | विद्यार्थी लेखकाचे भेटेक | 15/2/2007 |
| 2. जवाहरलाल नेहरू हायर सेकंडरी स्कूल, चंद्रवाडी - फातोर्डे | | |
| 3. अवरलेडी ऑफ रोझरी हायस्कूल, *फातोर्डें* | विद्यार्थी लेखकाचे भेटेक | 28/3/2009 |
| 4. मलिकार्जुन विद्यालय, *काणकोण* | विद्यार्थी लेखकाचे भेटेक | 25/3/2009 |
| 5. कात्यायनी बाणेश्वर विद्यालय, *पणसुले - काणकोण* | लेखक विद्यार्थ्यांचे भेटेक | 7/3/2009 |
| 6. हॉली क्रॉस इस्टीस्ट्युट, *केपें* | विद्यार्थी लेखकाचे भेटेक | 26/2/2009 |
| 7. हॉली स्प्रिरीट हायस्कूल, *मडगांव* | लेखक विद्यार्थ्यांचे भेटेक | 13/3/2010 |
| 8. शारदा इंग्लीश हायस्कूल, *माशेल* | लेखक विद्यार्थ्यांचे भेटेक | 25/8/2010 |
| 9. अवर लेडी ऑफ माऊन्ट कार्मेल हायस्कूल, *हरमल* | लेखक विद्यार्थ्यांचे भेटेक | 13/10/2010 |
| | विद्यार्थी लेखकाचे भेटेक | 5/2/2011 |

# 3. संगीत विभाग

## अ. संगीत निर्मिती अर्थीक आदार येवजण:

2005 - 2006 ह्या अर्थीक वर्सा अकादेमीन आपलो संगीत विभाग नेटान कार्यरत करपाक पावलां उखल्लीं आनी 'कोंकणी संगीत निर्मिती' येवजण तयार करून चालीक लायली. हे खातीर संस्था आनी व्यक्तींकडल्यान जाहीरपणान अकादेमीन अर्ज मागयले आनी निधिचे उपलब्धेप्रमाण तशेंच निवड

समितीचे शिफारशीक धरून संगिताच्यो कार्यावळी करूंक अर्थीक पालव दिलो. अकादेमीचो प
मेळिल्ले संस्थेन तांचे निर्मितीचो पयलो प्रयोग विनामुल्य दाखोवपाचो अट हे येवजणेंत घाल्ली आस

आजवेर अकादेमीन फुडल्या संस्थांक संगीत निर्मिती करपाखातीर अर्थीक पालव दिला:

## 2005 - 2006

**क्र.** **संस्थेचें नांव आनी पत्तो**

1. श्री. अजय नायक, फोंडें, गोंय.
2. अक्षर मेळ, वळवय, फोंडें, गोंय.
3. स्वरश्री, वास्को, गोंय.

## 2006 - 2007

1. श्री. अजय नायक, फोंडें, गोंय
2. वंदना प्रोडक्शन बोरी, फोंडें, गोंय.
3. श्रीमती शकुंतला भरणे, पणजी, गोंय.
4. गिरिजा थिएटर्स, काणकोण, गोंय.

## 2007 - 2008

1. अक्षर मेळ, सावय वेरें, फोंडें, गोंय.
2. सृजन सांगें, गोंय
3. श्री शांतादुर्गा कल्चरल असोसिएशन, कुंभारजुवें, गोंय
4. कॉज्मा फेर्नांडीस, पेडणें, गोंय

## 2008 - 2009

1. श्री. आर्यादुर्गा संगीत वर्ग, कुडचडें, गोंय
2. रायसिंग स्टार्स म्युझिक ॲकाडमी, शिरोडें, गोंय
3. बांदिवडे कलावृंद, बांदिवडें, फोंडें, गोंय
4. कला मोगी, कांदोळीं, गोंय

## 2009 - 2010

1. आग्नेल द बोरी, फोंडें, गोंय
2. नादब्रह्म, वास्को, गोंय

3. यश प्रॉडॅक्शन, ओकांब, धारबांदोडें, गोंय
4. स्वरश्री, वास्को, गोंय

## आ. संगीत विशयावयले परिसंवाद / परिचर्चा

संगीत विशयाचेर अकादेमीन फुडले दोन खाशेले परिसंवाद घडोवन हाडले.

I. **'गीत आनी संगीत'** ह्या विशयाचेर 11 आनी 12 सप्टेंबर 2004 ह्या दिसांनी अकादेमीन राजीव गांधी कला मंदीर, फोंडें हांगा एक परिसंवाद घडोवन हाडलो. नामनेचे संगीत दिग्दर्शक श्री. अशोक पत्की हे कार्यावळीक उद्घाटक म्हण हाजीर आशिल्ले. नामनेचे कोंकणी गितकार श्री. हरदत्त खांडेपारकार आनी संगीतकार श्री. रघुनाथ फडके हे कार्यावळीक खास आमंत्रीत म्हण उपस्थीत रावले. परिसंवादांत एकूण पांच सत्रां जालीं.

II. **'कोंकणी भार्शेत गझल निर्मिती'** ह्या विशयाचेर एक परिचर्चा 20 नोवेंबर 2005 ह्या दिसा अकादेमीन राजीव गांधी कला मंदीर, फोंडें हांच्या जोडपालवान घडोवन हाडली. राष्ट्रीय पावंड्यावेले नामनेचे संगीततज्ञ श्री. भीमराव पांचाळ हांचे हस्तुकीं हे परिचर्चेचें उक्तावण जालें.

## इ. संगीत विशयावयलीं फुडलीं दोन पुस्तकां अकादेमीन उजवाडाक हाडल्यांत:

| क्र. | पुस्तकाचें नांव | लेखक | वर्स |
|---|---|---|---|
| I. | नादब्रह्म | शकुंतला भरणे | (2006) |
| II. | तबलें | श्रीधर बर्वे | (2008) |

# 4. लोकवेद विभाग

## अ. लोकवेदाचें दस्तऐवजीकरण:

गोंयच्या तळा-गाळांत भोंवन दिसपट्ट्या ना जायत वतल्या लोकवेद प्रकारांचें दस्तऐवजीकरण करपाचो प्रकल्प 1988 वर्सासावन अकादेमीन हातांत घेतलो आनी गोंयच्या साबार लोकवेद प्रकारांचें फोटो, ओडियो आनी व्हिडियो रुपान दस्तऐवजीकरण केलें. सुमार चाळीस वयर प्रकारांचें दस्तऐवजीकरण विभागान आजवेर केल्लें आसा.

## आ. लोकवेद प्रकल्पः

लोकवेद विभागाखाला दस्तऐवजीकरण करपाची येवजण आंखून, फुडले प्रकल्प करपाखातीर अकादेमीन लोकवेद समितीचे शिफारशी प्रमाण अभ्यासकांक अर्थीक पालव दिलो.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. मांडो | – | कला निकेतन, माजोड्डें | (2005 - 2006) |
| 2. रणमालें | – | झिलू गांवकार | (2005 - 2006) |
| 3. गाराणें | – | दिलीप पालसरकार | (2009 - 2010) |

## इ. लोकवेद शिश्यवृत्तीः

I. 1987-88 वर्सा कु. जयंती नायक हिका लोकवेद विशयांत म्हैसूर विद्यापिठाचो पोस्ट ग्रज्युएट डिप्लोमा कोर्स करपाखातीर अकादेमीन शिश्यवृत्ती दिली. तशेंच 1987-89 ह्या काळांत लोकवेद विशयांत म्हैसूर विद्यापिठांतल्यान एम्. ए. करपा खातीर अकादेमीन कु. पुष्पलता कासकर हिका शिश्यवृत्ती दिली.

### II. लोकवेद संकलनाक शिश्यवृत्तीः

लोकवेदाच्या तरेकवार प्रकाराचें संकलन ज़ावचें आनी नवे उमेदवार ह्या क्षेत्रांत येवंचे ह्या हेतून अकादेमीन, 2006-2007 वर्सा 'लोकवेद संकलकांक शिश्यवृत्ती' येवजण तयार केली. सुरवेक लोकवेद समितीचे शिफारशी प्रमाण 'धालो' हो संकलनाचो विशय घेतलो आनी पांच तरणाट्यांक प्रत्येकी रू. 15,000/- ची शिश्यवृत्ती मान्य केली. हातुंतल्या फुडल्या चार उमेदवारांनी आपलो वावर पुराय करून अकादेमीक सादर केला. तांचीं नांवां अशीं:

1. श्री. काशीनाथ नायक
2. श्री. दिलीप पालसरकार
3. श्री. गोपीनाथ गांवस
4. कु. नम्रता वायंगणकार

III. 2005 - 2006 ह्या वर्सा कु. मनीषा सावंत हिका 'तळावलेचो दसरो', 'गावणेची टक्या जात्रा आनी फोंडेचो वीरभद्र' ह्या तीन उत्सवांचो अभ्यास करपाखातीर अकादेमीन रू. 5000/- ची अभ्यासवृत्ती दिल्या.

## ई. पुस्तक प्रकाशनां:

लोकवेद विभागाचे वतीन, लोकवेद विशयावयलीं फुडलीं पुस्तकां अकादेमीन प्रकाशीत केल्यांत:

| क्र. | पुस्तकाचें नांव | लेखक | वर्स |
|---|---|---|---|
| 1. | गोंयच्या लोकवेदाचो रुपकार | श्याम वेरेंकार | 1991 |
| 2. | रथा तुज्यो घुडयो | जयंती नायक | 1992 |
| 3. | तळय उखल्ली खेळ्यांनी | जयंती नायक | 1993 |
| 4. | कणेर खुंटी नारी | जयंती नायक | 1993 |
| 5. | मानालीं गितां | जयंती नायक | 1993 |
| 6. | आमोणें – एक लोकजीण | जयंती नायक | 1993 |
| 7. | कांसावलेचें रायां फेस्त | चंद्रकांत केणी | 1996 |
| 8. | पेडणेचो दसरो | जयंती नायक | 1995 |
| 9. | लोकबिंब | जयंती नायक | 1998 |
| 10. | कर्लेची बनवड | जयंती नायक | 2002 |
| 11. | कोंकणी म्हणीसागर | मनोहर पै धुंगट | 2003 |
| 12. | गांवरान | जयंती नायक | 2005 |
| 13. | राजरत्नां | जयंती नायक | 2005 |
| 14. | गोंयचे पारंपारीक खेळ | भूषण भावे | 2005 |

## उ. हेर उपक्रम

I. विवीध जाग्यांनी लोकवेद फोटवांचीं प्रदर्शनां घडोवन हाडल्यांत.

II. लोकवेद विशयावयलीं कृतिसत्रां घडोवन हाडल्यांत तशेंच हेर संस्थांक अश्यो कार्यावळी घडोवन हाडूंक अर्थीक पालव दिला.

III. कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय आयोजीत युवा महोत्सवांतली 'लोकमांड' सर्त वट्ट चार वर्सां पुरस्कृत केल्या.

IV. लोकवेद अभ्यासप्रकल्पां खातीर साबार महाविद्यालयीन आनी विद्यापीठ थरावयल्या विद्यार्थ्यांक लोकवेद विभागाची संशोधिका डॉ. जयंती नायक हिणें मार्गदर्शन केलां.

# 5. भासशास्त्र आनी कोश विभाग

## भासशास्त्र

### अ. कोंकणी भाशेचें शब्द भांडार:

कोंकणी भाशेचें शब्दभांडार तयार करपाखातीर गोंयच्या विंगड विंगड वाठारांत उलयतली उतरावळ पुंजावपाचें काम सुरवेक अकादेमीन हातांत घेतलें. ह्या कामाखातीर जवाहरलाल नेहरू विद्यापीठ, दिल्ली हांगाच्या भासशास्त्र विभागाच्यो प्राध्यापिका डॉ. (श्रीमती) अबी हांचेकडच्यान श्री. प्रकाश वजरीकार हांकां खास प्रशिक्षण दिलें. तांणी पुंजायिल्लें शब्दभांडार गणकयंत्राच्या आदारान वर्गिकरण करपाचो वावर डॉ. काशिनाथ महाले हांच्या मार्गदर्शनाखाला जालो. ह्या वावरांतल्या 'कोंकणी उतरावळ' हें पुस्तक 1995 वर्सा अकादेमीन उजवाडायलें.

### आ. कोंकणी शुद्ध लेखनाचे नेम:

देवनागरी लिपींत कोंकणी बरोवपाच्या शुद्धलेखनाच्या नेमाच्यो अकादेमीन आजवेर चार आवृत्ती प्रकाशीत केल्यो. 2007 वर्सा अकादेमीन चवथी आवृत्ती उजवाडायली. 2007 वर्सा अकादेमीन 'ROMI LIPIENT KONKANNI BOROVPACHI NEMAVOLL' ही पुस्तिका उजवाडायली.

## कोश विभाग

### अ. कोंकणी शब्दसागर:

शब्दकोश विभागाखाला अकादेमीन 'कोंकणी शब्दसागर' हो विश्वकोशरुपी शब्दकोशाचो म्हत्वाचो प्रकल्प स्थापने उपरांत रोकडोच हातांत घेतिल्लो. श्री. पांडुरंग भांगी हांकां ह्या प्रकल्पाचे अकादेमीन संपादक नेमले तर प्रा. एस्. एस्. नाडकर्णी हांकां उपसंपादक. ह्या कोशाचो **अ–अक्षराचो पयलो खंड** अकादेमीन 1992 वर्सा उजवाडाक हाडलो. उपरांत 2003 वर्सा **'आ'** अक्षर आशिल्लो दुसरो खंड प्रकाशीत केलो. मजगती श्री. भांगी आनी प्रा. नाडकर्णी हांणी आपल्या भलायकेच्या कारणांक लागून राजिनामो दिल्ल्यान अकादेमीन सद्याक तिसऱ्या **'इ ते अः'** मेरेनच्या अक्षरांचो आस्पाव आशिल्ल्या खंडांची निर्मणी करपाचो वावर आनी संपादनाची जबाबदारी डॉ. अनंत राम भट हांचेर सोंपयल्या. ताचो वावर चालू आसा.

## आ. कोंकणी-इंग्लीश शब्दकोश:

सुमार 15,000/- उतरां आशिल्लो डॉ. मनोहरराय सरदेसाय हांणी निर्मिती केल्लो एक शब्दकोश अकादेमीच्या शब्दकोश विभागावरवीं अकादेमीन 2003 वर्सा उजवाडायला.

## इ. कोंकणी-कोंकणी शब्दकोश - खंड 4 थो:

श्री. श्रीपाद देसाय हांणी संपादीत केल्ल्या कोंकणी-कोंकणी शब्दकोशाचो 4 थो खंड उजवाडाक हाडूंक अकादेमीन अर्थीक पालव दिला.

## ई. कोश विभागाची हेर प्रकाशनां:

I. इंग्लीश-कोंकणी हिंदी उतरावळ श्री. चंद्रकांत केणी *(पयली आवृत्ती 1990 दुसरी आवृत्ती 2003)*

II. कोंकणी समिक्षेची उतरावळ प्रियदर्शनी तडकोडकार 2006

## उ: कोंकणी : कोण खंयचो (डिरेक्टरी 2010) संकलन: श्री. अशोक कामत

**श्री. अशोक कामत** हांणी संकलन केल्ली ही लेखक, कलाकार, संख्या, शिक्षक हांचे विशींची महिती आशिल्ली सुची अकादेमीन 2010 वर्सा उजवाडायली.

## ऊ. विज्ञानीक आनी तकनिकी उतरावळ:

नवी दिल्लीच्या विज्ञानीक आनी तकनिकी शब्दावली आयोगान कोंकणीची प्रशासकीय, रसायनशास्त्र आनी जीवशास्त्र अश्यो उतरावळी तयार करपाखातीर घडोवन हाडिल्ल्या कार्यशाळांक गरज तो थळावो पालव अकादेमीन दिला.

## ए. क्लारिसा व्हाज ई मोरेनास संशोधनवृत्ती:

श्री. झेनायदीस मोरेनास हांणी आपणाली आवय स. क्लारिसा व्हाज ई मोरेनास हांच्या नांवान कोंकणी भाशेचें भासशास्त्रीय नदरेंतल्यान संशोधन करचेपासत दर दोन वर्सांनी रू. 15,000/- संशोधनवृत्ती दिवपाचो प्रस्ताव अकादेमीकडेन मांडलो. अकादेमीन तो मानून घेवन तांणी दिल्ल्या निधिची गुंतवणूक केली आनी कळंतराच्या दुडवांतल्यान संशोधनवृत्ती दिवपाची येवजण तयार केली.

2003 - 2004 वर्सा हे येवजणेंतली पयली संशोधनवृत्ती श्री. विशाल शेणवी खांडेपारकार ह
अकादेमीन 'गोंयच्या पारंपारीक वेवसायाची उतरावळ' *(माडा संबंदान)* ह्या विशयाचेर सोद करपाख
भेटयली. हो वावर पुराय करून तांणी अकादेमीक भेटयिल्लो आसा.

2006 - 2008 ह्या काळाखातीर दुसरी संशोधनवृत्ती अकादेमीन कु. सोनाली विश्वंभर फडते ि
'कोंकणींतलीं उश्णीं उतरां' ह्या विशयाचेर सोद वावर करूंक दिल्ली आसा. तिचो वावर चलता.

### ऐ. शब्दकोश विभागाचे सद्याक चालू आसात ते उपक्रम अशे:

| | |
|---|---|
| 1. Inglez-Konknni (Romi Lipi) | (Goa Konkani Akademi Nirmit) |
| 2. कोंकणी शब्दसागर (खंड–3) | (संपादक: डॉ. अनंतराम भट) |
| 3. हिन्दी–कोंकणी शब्दकोश | (संपादक: डॉ. अनंत राम भट) |
| 4. कोंकणी–हिन्दी शब्दकोश | (गोवा कोंकणी अकादेमी निर्मित) |

# 6. सांस्कृतीक विभाग

सांस्कृतीक विभागाखाला अकादेमीन कोंकणी नाट्य महोत्सव, तियात्र महोत्सव, बालन
महोत्सव, बालसाहित्य संमेलन, युवा साहित्य संमेलन अशे उपक्रम चालीक लायल्यात. तांची मा
अशी:

### अ. कोंकणी नाट्य महोत्सव:

**1 लो नाट्य महोत्सव: चावडी, काणकोण, गोंय**

सह–आयोजक: काणकोण कोंकणी कला केंद्र, काणकोण

**(14 ते 17 मार्च 1993)**

| क्र. संस्था | नाटक | लेखक/अणकारपी |
|---|---|---|
| 1. रंगसांगाती, वळवय | आत्मवंचना | पुंडलीक नायक |
| 2. काणकोण कोंकणी कला केंद्र, काणकोण | श्री विचित्राची जात्रा | पुंडलीक नायक |
| 3. श्री नागेश महालक्ष्मी प्रासादीक नाट्य समाज, बांदोडें | सुरींग | पुंडलीक नायक |
| 4. अंत्रुज लळितक, नागेशी | रथोत्सव | दत्ताराम कामत बांबोळकार |

## 2 रो नाट्य महोत्सव: धारबांदोडें, गोंय

सह-आयोजक: हेमाडबारशें कोंकणी कला केंद्र, हेमाडबारशें.

**(14 ते 22 मार्च 1994)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. सह्याद्री युवक संघ, धावशिरें | घुगूम रडटा | देविदास बाबय |
| 2. श्री नागेश महालक्ष्मी प्रासादीक नाट्य समाज, बांदोडें | भुरगीं बाळां जळामळा | प्रकाश थळी |
| 3. रंगसांगाती, वळवय | पिंपळ पेटला | पुंडलीक नायक |
| 4. विकास मंदीर, मेरशी | युगान्त | भरत नायक |

## 3 रो नाट्य महोत्सव: वाळपय गोंय

सह-आयोजक: ग्रामीण विकास शिक्षण संस्था, सत्तरी

**(22 ते 25 मार्च 1995)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. ग्रामीण विकास शिक्षण संस्था, वाळपय | राखण | पुंडलीक नायक |
| 2. कला संघ, अस्नोडें | एका नव्या विचाराची सुरवात | अविनाश च्यारी |
| 3. श्री नागेश महालक्ष्मी प्रासादीक नाट्य समाज, बांदोडें | घेतलें हड्ड्यार | प्रकाश थळी |
| 4. अंत्रुज ललितक, नागेशी | सत्य माड्डीतां माड्डीतां | दत्ताराम कामत बांबोळकार |

## 4 थो नाट्य महोत्सव: पार्से, पेडणें गोंय

सह-आयोजक: पार्से युवक संघ, पार्से

**(3 ते 6 जानेवारी 1996)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. नाट्य दर्पण असोसिएशन, खोर्जुवें | सुर्यसावंट | पुंडलीक नायक |
| 2. कोंकणी कला साहित्य केंद्र, कुडचडें | जागर | सुभाष नायक |
| 3. अंत्रुज ललितक, नागेशीं | सुंवारी | विष्णु वाघ |
| 4. रंगसांगाती, वळवय | चैतन्याक मठ ना | पुंडलीक नायक |

## 5 वो नाट्य महोत्सव: कुडचडें गोंय

सह-आयोजक: कोंकणी कला साहित्य केंद्र, कुडचडें

**(22 ते 25 जानेवारी 1997)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. कोंकणी कला साहित्य केंद्र, कुडचडें | तका थैया | सुभाष नायक |
| 2. कला निकेतन, उतोर्डें | मोरोण *(तियात्र)* | मायकल ग्रसियस |
| 3. नागेश कला संघ, नागेशी | घरची गजाल घराच्या घरा | देविदास बाबय |
| 4. अंत्रुज लळितक, नागेशी | धरणगाज | विष्णु वाघ |

## 6 वो नाट्य महोत्सव: मयें गोंय

सह-आयोजक: नाट्य रसिक, मयें

**(18 ते 21 फेब्रुवारी 1998)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. बांदोडें युथ क्लब, बांदोडें | बायल पिशी लफडें कुशी | दत्ताराम कामत बांबो |
| 2. ड्रमॅटिक ट्रूप ऑफ रायबंदर | धंदो (तियात्र) | डायगो फेर्नांडीस |
| 3. नवज्योत युवामंच, वास्को | युगांत | भरत नायक |
| 4. कोंकणी कला साहित्य केंद्र, कुडचडें | घुस्मट | वसंत सावंत |

## 7 वो नाट्य महोत्सव: शिरोडें गोंय

सह-आयोजक: कोंकणी सेवा केंद्र, शिरोडें

**(22 ते 25 एप्रिल 1999)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. अंत्रुज लळितक, नागेशी | रंगयात्रीक | दत्ताराम कामत बां |
| 2. कला निकेतन, उतोर्डें | मोयपास *(तियात्र)* | मायकल ग्रासियस |
| 3. नागेशी कला मंच, बांदोडें | बापूय हिमटो, धुवेन काडलो चिमटो | प्रशांत सतरकार |
| 4. उदेंतचें कळे, काणकोण | भोगोस म्हाका *(तियात्र)* | बॅर्नाड फेर्नांडीस |

## 8 वो नाट्य महोत्सव: बाणावलीं गोंय

सह-आयोजक: कोंकणी सेवा केंद्र, बाणावली

**(22 ते 25 फेब्रुवारी 2000)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. अँथनी सॅन, मडगांव | सोत *(तियात्र)* | अँथनी सॅन |
| 2. अंत्रुज लळितक, नागेशी | डॅडी | दत्ताराम कामत ब |

| | | |
|---|---|---|
| 3. पांडुरंग प्रसादीक नाट्य मंडळ, सांखळी | चैतन्याक मठ ना | पुंडलीक नायक |
| 4. कला निकेतन, उतोड्डें | सूर्यास्त *(तियात्र)* | मायकल ग्रासियस |

## 9 वो नाट्य महोत्सव: बोरी गोंय

सह-आयोजक: बोरी स्पोर्ट्स क्लब, बोरी

**(16 ते 20 मार्च 2001)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. वरदांबिका कला संघ, फोंडें | दिव्या दिव्या दीपत्कार | पुंडलीक नायक |
| 2. साव गोसालो ड्रॅमॅटीक ट्रूप, कुजिरा | निसोर *(तियात्र)* | ए.एम.आरावजो |
| 3. प्रभाकर सांस्कृतीक संस्था, करंजाळें | ते साडेतीन दीस | साईश देशपांडे |
| 4. कला मोगी, कांदोळी | अर्थ *(तियात्र)* | तोमाझिन्यू कार्दोज |
| 5. ग्रामीण विकास शिक्षण संस्था, वाळपय | आनी एक बुटो फुल्लो | प्रकाश वजरीकार |

## 10 वो नाट्य महोत्सव: नेतुर्ली गोंय

सहआयोजक: कोंकणी माची मोगी, नेतुर्ली

**(19 ते 23 फेब्रुवारी 2002)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. अंत्रुज ललितक, नागेशी | परिक्रमा | पुंडलीक नायक |
| 2. अवर लॅडी ऑफ रेमेडीयल असोसिएशन, रायबंदर | दुयेंस *(तियात्र)* | दुमींग कार्दोज |
| 3. प्रभाकर सांस्कृतीक संस्था, करंजाळे | जंक्शन भारतपूर | यशवंत केळकार |
| 4. साव गोसालो ड्रॅमटीक ट्रूप, कुजिरा | नडणी *(तियात्र)* | ए. एम्. अरावजो |
| 5. ग्रामीण विकास शिक्षण संस्था, वाळपय | घट्टाण कोणाचें? | प्रकाश वजरीकार |

## 11 वो नाट्य महोत्सव : पार्से, गोंय

सह-आयोजक: पार्से युवक संघ आनी ध्रुव स्पोर्ट्र्स कल्ब, पार्से

**(11 ते 15 फेब्रुवारी 2003)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. कला चेतना, वळवय | कांसुलो | पुंडलीक नायक |
| 2. अंत्रुज ललितक, नागेशी | गे माये | दत्ताराम कामत बांबोळकार |
| 3. ग्रामीण विकास शिक्षण संस्था, वाळपय | काणी तशी जुनीच पूण... | प्रकाश वजरीकार |

| | | |
|---|---|---|
| 4. कला मंदीर, मेरशी | सावट | उल्हास नायक |
| 5. हावसिंग बोर्ड युथ असोसिएशन, वास्को | रातेर *(तियात्र)* | रॅजी फेर्नांडीस |

**12 वो नाट्य महोत्सवः दिवचल गोंय**

सह–आयोजकः श्री सिद्धीविनायक युवा मंच, बोर्डे, दिवचल

**(24 ते 28 फेब्रुवारी 2004)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. अथश्री, फोंडें | चित्र स्वयंवर | पुंडलीक नायक |
| 2. वरदांबिका कला संघ, फोंडें | रानभूल | दिलीपकुमार नाय |
| 3. ग्रामीण कला आनी सांस्कृतीक संस्था, वाळपय | साद अंतर्मनाचो | प्रकाश वजरीकार |
| 4. ड्रॅमॅटिक ट्रूप ऑफ रायबंदर | पराश्रयी *(तियात्र)* | डायगो फेर्नांडीस |
| 5. अंत्रुज ललितक, फोंडें | परत एकदा | श्रीधर कामत बां |

**13 वो नाट्य महोत्सवः मोर्ले, सत्तरी–गोंय**

सह–आयोजकः बारावंश कला संघ, मोर्ले–सत्तरी

**(8 ते 12 फेब्रुवारी 2005)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. ग्रामीण कला आनी सांस्कृतिक संस्था, वाळपय | आनी एक प्रश्नपर्व | प्रकाश वजरीकार |
| 2. अंत्रुज ललितक, फोंडें | सावार युग | श्रीधर कामत बां |
| 3. ड्रॅमॅटिक ट्रूप ऑफ रायबंदर | धागो *(तियात्र)* | डायगो फेर्नांडीस |
| 4. प्रिती संगम बांदोडा क्लब, बांदोडें | जमलें रे जमलें | राजय पवार |
| 5. अथश्री, फोंडें | सांगोड | पुंडलीक नायक |

**14 वो कोंकणी नाट्य महोत्सव डोंगरी – गोंय**

सह–आयोजकः डोंगरी कला आनी सांस्कृतिक मंच, डोंगरी आनी डिजे, डोंगरी

**(17 ते 21 जानेवारी 2006)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. ग्रामीण कला आनी सांस्कृतिक संस्था, वाळपय | परतीचे वाटेर | प्रकाश वजरीकार |
| 2. ॲल्फी आर्ट प्रोडक्शन, दिवार | पांखां *(तियात्र)* | आल्फ्रेड फेर्नांडीस |

| | | |
|---|---|---|
| 3. संकल्प थिएटर कल्चरल, कुडचडें | पप्पा सांगात कोणाचे ? | सुभाष चं. नायक |
| 4. प्रिती संगम बांदोडा क्लब, बांदोडे | आमचो हात जगन्नाथ | प्रा. राजय पवार |
| 5. प्रभाकर सांस्कृतीक संस्था करंजाळे | धांव धांव धावलो... | साईश देशपांडे |

## 15 वो कोंकणी नाट्य महोत्सव खोर्जुवें पोडवळ, खोर्जुवें, बारदेश

सह-आयोजक: खोर्जुवें नागरीक कृती समिती,

**(23 ते 27 जानेवारी 2007)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. बांदिवडें कलावृक्ष, बांदोडें | धर ताका सोडूं नाका | तुळशीदास धोणशीकार |
| 2. अंत्रुज ललितक, बांदोडें | जीवन मोख | दत्ताराम कामत बांबोळकार |
| 3. माची मोगी, सांताक्रुज | जबरदस्ती *(तियात्र)* | मिनिन एम्. आरावजो |
| 4. कला अंकूर, पणजी | देहभान | प्रकाश पर्येंकार |
| 5. ग्रामीण कला आनी सांस्कृतिक संस्था, वाळपय | तो एक दीस | प्रकाश वजरीकार |

## 16 वो कोंकणी नाट्य महोत्सव कुडचिरें - दिवचल

सह-आयोजक: डायनेमीक युथ असोसिएशन, कुडचिरें - दिवचल

**(22 ते 27 जानेवारी 2008)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. अभियान आर्ट प्रोडक्शन, पर्वरी, निर्मित | आज्या रे आज्या | गोविंद अच्युत रायकार |
| 2. ग्रामीण कला आनी सांस्कृतिक संस्था, वाळपय | नातें दर्या पलतडचें | डॉ. प्रकाश वजरीकार |
| 3. सेंट मायकल सोशियो-कल्चरल असोसिएशन ताळगांव | माळी *(तियात्र)* | पेद्रो वाज |
| 4. कला अकादमी गोंय, रंगमेळ | देवचार खेळयता मोग्यांक मेळयता | अविनाश च्यारी |
| ५. रुद्रेश्वर, पणजी | कुकमादेवीची दिपमाळ | डॉ. जयंती नायक |

## 17 वो कोंकणी नाट्य महोत्सव रवींद्र भवन-मडगांव गोंय

सह-आयोजक: कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय

**(26 ते 30 जानेवारी 2009)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. रंगचिन्नारी, कासरगोड, मंगळूर | गांठी | कांसरगोड चिन्ना |
| 2. आल्फी आर्ट प्रोडक्शन, दिवार | पुळ्ळां | आल्फ्रेड फेर्नांडीस |
| 3. श्री सरस्वती सांस्कृतिक मंडळ, रावण-सत्तरी | चतुरंगा | पुंडलीक नायक |
| 4. अभियान आर्ट प्रोडक्शन, पर्वरी | आ बैल मुझे मार | गोविंद रायकार |
| 5. रुद्रेश्वर, पणजी | काळमाया | डॉ. जयंती नायक |

## 18 वो कोंकणी नाट्य महोत्सव गांवांत (केरांत) कुंभारजुवें - गोंय

सह आयोजक: श्री शांतादुर्गा सरस्वती मंडळ, कुंभारजुवें - गोंय

## (15 ते 20 डिसेंबर 2009)

| | | |
|---|---|---|
| 1. श्री दामबाबाले घोडें कल्चरल, असोसिएशन मडगांव निर्मित | सॉरी रॉंग नंबर | साईश पाणंदीकर |
| 2. अभियान आर्ट प्रोडक्शन, पर्वरी | आयज म्हजें फाल्यां तुजें | गोविंद रायकार |
| 3. कला मोगी कांदोळी, गोंय | ॲक्सीडेन्ट | तोमाझिन कार्दोज |
| 4. अंत्रुज ललितक, नागेशी, बांदोडें | सुरींग | पुंडलीक नायक |
| 5. साई संकल्पना वळवय, फोंडें गोंय | कुत्रे | श्रीधर कामत बांबो |

## 19 वो नाट्य महोत्सव नागेशी बांदोडें, गोंय

सह आयोजक अंत्रुज ललितक, नागेशी, बांदोडे, गोंय

## (4 ते 8 जानेवारी 2011)

| | | |
|---|---|---|
| 1. ग्रामीण कला आनी सांस्कृतिक संस्था, वाळपय | होमकांड | डॉ. प्रकाश वजरीक |
| 2. श्री सातेरी क्रीडा आनी सांस्कृतिक मंडळ, उस्तें सत्तरी | रणगें | विजय तेंडुलकार |
| 3. गोंयकारांची कोंकणी भास संगीत कला आनी सांस्कृतिक मंडळ, मेरशी, गोंय | करता ती वाट *(तियात्र)* | अविंटो फर्नांडीस |
| 4. अभिमान आर्ट प्रोडक्शन, परवरी | आस | गोविंद रायकार |
| 5. अंत्रुज ललितक, नागेशी, बांदोडें, | अशेच आनी इतलेंच | शाबा कुडतरकार |

## आ. तियात्र महोत्सवः

### 1 लो तियात्र महोत्सव

जागोः भरवंशाचे सायबिणीचे इगर्जेकडेन, कांदोळे, गोंय

**(11 ते 16 डिसेंबर 2007)**

| क्र. संस्था | तियात्र | लेखक/अणकारपी |
|---|---|---|
| 1. कला मोगी, कांदोळे | अद्रुश्टी जिवीत | जुआंव कार्दोज |
| 2. तरणाट्यांचो एकवट, मडगांव | फांतोड | आग्नेल फेर्नांडीस |
| 3. कला अकादेमी गोंय, रंगमेळ | देवचार खेळयता<br>मोग्याक मेळयता *(नाटक)* | अविनाश च्यारी |
| 4. एस.बी. आर्ट जॉन डि सिल्वा ड्रामॅटीक ट्रोवपे | व्हडें | जॉन डि सिल्वा |
| 5. ब्रिटोना ड्रॅमॅटीक अकादेमी | चुडीत | डेरीक डि मेलो |

### 2 रो तियात्र महोत्सव

जागोः नेतुर्ली, दोंगरीं, सांगें, गोंय

जोड आयोजकः कोंकणी माची मोगी, नेत्रावळी युवा मांच, नेतुर्ली

**(6 - 11 जानेवारी, 2009)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. आल्फी आर्ट प्रोडक्शन, दिवार | पुळ्ळां | आल्फेड फेर्नांडीस |
| 2. एस बी आर्ट जॉन डी सिल्वा ड्रॅमॅटीक ट्रूप, सालसेत | नाटक | जॉन डी सिल्वा |
| 3. अभियान आर्ट प्रोडक्शन, परवरी | आ बैल मुझे मार *(नाटक)* | गोविंद रायकार |
| 4. अवर लेडी ऑफ रेमेडीओ चॅपल असोसिएशन, रायबंदर | देव आनी धर्म | कार्मीन फेर्नांडीस |
| 5. कला क्रिडा सांस्कृतिक मंडळ, काणकोण | हें अशेंच चलतलें | आर. बी. एस्. कोमरपंत |

### 3 रो तियात्र महोत्सव

जागोः श्रद्धानंद विद्यालय पैंगीण, काणकोण

**(18 - 24 जानेवारी 2010)**

जोड आयोजक: कला क्रिडा सांस्कृतिक मंडळ, पैंगीण, काणकोण

| | | |
|---|---|---|
| 1. तरणाट्याचो एकवट, बोर्डा, मडगांव | आसरो जाय | आग्नेल फेर्नांडीस |
| 2. अकार, पैंगीण, काणकोण | मेलो उल्लो एकूच *(नाटक)* | बाबा प्रसाद |
| 3. दामबाबाले घोडे कल्चरल असोसिएशन, मडगांव | सॉरी रॉग नंबर *(नाटक)* | साईश पाणंदीकर |
| 4. पैंगीण कला क्रिडा सांस्कृतीक मंडळ, काणकोण | त्याग | आर.बी. एस्. कोमरपंत |
| 5. आल्फी आर्ट ऑफ प्रोडक्शन, दिवार | पुरो आमी त्रास काडले ते | |
| 6. अंत्रुज ललितक, नागेशी, बांदोडें | सुरींग *(नाटक)* | पुंडलीक नायक |

**4 थो तियात्र महोत्सव**

जागो: जुजे मारिया जिजस फिरगज मैदान, नुवें साश्ट, गोंय

जोड आयोजक: पॅरीश युथ, नुवें.

**(18 - 22 जानेर 2011)**

| | | |
|---|---|---|
| 1. आमी दायज, फातोर्डा, सालसेत | कुसवो | कोंन्सेसांव फेर्नांडीस |
| 2. गोंयकाराची कोंकणी भास संगीत आनी सांस्कृतिक केंद्र, मेरशे | करता ती वाट | आवितो फेर्नांडीस |
| 3. आल्फी आर्ट ऑफ प्राडक्शन, दिवार | पाचारें | आल्फ्रेड फेर्नांडीस |
| 4. अंत्रुज ललितक, नागेशी, बांदोडें | सुरींग *(नाटक)* | पुंडलीक नायक |
| 5. पेन्ह दे फ्रांस युथ कल्ब पेन्ह दे फ्रांस | वादळ | डेरीक डि मेलो |

## इ. नाटक विभागाखाला अकादेमीन फुडलीं नाटकाचीं/तियात्राचीं पुस्तकां स्वता प्रकाशीत केल्यात:

### 2005 - 2006

| क्र. पुस्तकाचें नांव | लेखकाचें नांव |
|---|---|
| 1. स एकांकी | सं. साल्वादोर फेर्नांडीस |
| 2. देवाक जाय जाल्यार *(तियात्र)* | बेन एवांजलीस |
| 3. आमी सगळे एक *(तियात्र)* | तोमाझीन कार्दोज |

| | |
|---|---|
| 4. घराचे सूख *(तियात्र)* | रेमी कुलासो |
| 5. पुर्तुगीज कलवंत *(तियात्र)* | जॉन कलार फेर्नांडीस |
| 6. एके रातीन एके वातीन | भरत नायक |
| 7. अंता अंता शिरीमंता | राजय पवार |
| 8. घट्टाण कोणाचें? | प्रकाश वजरीकार |
| 9. रंगयात्री | दत्താराम बांबोळकार |

## ई. नाटक तियात्र मांड येवजण:

सुरवेक कांय पुस्तकां स्वता उजवाडाक हाडल्यात उपरांत 2006 - 2007 वर्सा अकादेमीन 'नाटक-तियात्र मांड येवजण' अशी खाशेली येवजण ह्या विभागाखाला तयार करून नाटकाचीं पुस्तकां उजवाडावपाखातीर लेखकाक 75% अर्थीक पालव दिवपाक सुरवात केली. हे सुदारीत येवज़णेखाला अकादेमीन आजवेर फुडल्या पुस्तकांच्या प्रकाशनांक अर्थीक पालव दिला:

| क्र. पुस्तकाचें नांव | लेखकाचें नांव |
|---|---|
| **2006 - 2007** | |
| 1. आमचो हात जगन्नाथ | राजय पवार |
| 2. हम होंगे कामयाब | हनुमंत चोपडेकार |
| 3. हय सायबा | भरत नायक |
| 4. राव राव बाबुराव | सम्राट बोरकार |
| 5. एक सांज अमुरपिकी | अशोक कामत |
| 6. Bovall *(Khell Tiatr)* | John D'Silva |
| 7. Mhaka Jiyeunk Zai *(Tiatr)* | Caetano Pereira |
| 8. Mhaka Nokri Mell'lli *(Tiatr)* | Menino M. Araujo |
| 9. Matiechem Aidon *(Tiatr)* | Pascoal Rodrigues |
| **2007 - 2008** | |
| 10. कैदी नंबर 01 | हनुमंत चोपडेकार |
| 11. Ek Sonvsar Konvchecho *(Tiatr)* | Rodney Severes |
| 12. Lok Nit *(Tiatr)* | Menino M. Araujo |

| | |
|---|---|
| 13. घुमचे कटर घूम | सम्राट बोरकार |
| 14. तो एक दीस | प्रकाश वजरीकार |
| 15. देवा तूं पाव | उल्हास नायक |
| 16. डरनेका नाय | राजय पवार |
| 17. सत्ते फुडलें शाणपण | भरत नायक |
| 18. Konn To Khuni? *(Tiatr)* | Brazino Savaris |
| 19. वांकडे म्हेडीक वांकडे नेम | नरेंद्र कामत |

**2008 - 2009**

| | |
|---|---|
| 20. म्हाल अपना, फुलय सपनां | सम्राट बोरकार |
| 21. आमी केलें पातक | जॉकी |
| 22. जांवयाची करामत | विजेश ज. सावंत |
| 23. जमले रे जमले | राजय पवार |
| 24. Chondrim | Ben Evangelisto |
| 25. हरी आमचो टेंपररी | हनुमंत चोपडेकार |
| 26. फटय फटय फटयलें | उल्हास य. नायक |
| 27. Soimbacho Khell *(Tiatr)* | Menino M. Araujo |

**2009 - 2010**

| | |
|---|---|
| 28. Mogiancho Dongor | Menino M. Araujo |
| 29. Jivit Samballum-ia | Sukor Rebelo |
| 30. शिमेपुरूस | मिलींद हरिश्चंद्र काकोडकार |
| 31. नाटक एका नाटकाचें | राजय पवार |

## ३. तियात्राची शंबरी आनी तियात्राचे झेले

1992 वर्स अकादेमीन 'तियात्राची शंभरी' वर्स म्हण मनयलें. ह्या निमतान 20-4-1993 दिसा गोमंत विद्या निकेतन, मडगांव हांगा खाशेलो दबाजो घडोवन हाडून सुमार 16 नांवाजत्या तियात्र कलाकारांचो सत्कारूय केलो.

तियात्राची शंबरी निमतान अकादेमीन प्रा. प्रकाश थळी हांचेकडल्यान 'तियात्राचो इतिहास'

(1993) हें पुस्तक खासा बरोवन घेवन उजवाडायलें. ह्या शिवाय,

1. सोंपिल्ल्या तियात्रीश्तांच्या तियात्रांचो झेलो,
2. आर्विल्ल्या तियात्रीश्तांच्या तियात्रांचो झेलो आनी
3. खेळ तियात्रांचो झेलो

अशे तीन झेले उजवाडाक हाडपाचीय थारावणी अकादेमीन केल्ली. हातुंतले पयले दोन झेले **तियात्राचो झेलो भाग-1** (1996) आनी **तियात्राचो झेलो भाग-2** (1998) उजवाडाक येवंक पावले. ह्या दोनय झेल्यांचे संपादक श्री. फेलिसियु कार्दोज हे आसात. ह्या झेल्यांत फुडल्या तियात्रिस्तांचे तियात्र आस्पावल्यात:

**तियात्राचो झेलो -1**

1. सी. आल्वारीस
2. रेमी जे. कुलासो
3. जॉन क्लार फेर्नांडीस
4. प्रेम कुमार
5. एम्. बॉयर

**तियात्राचो झेलो-2**

1. जुवांव आगोस्तीन फेर्नांडीस
2. आलेक्सीनो द कांदोळी
3. जे. पी. सौझालीन
4. ए. आर. सौजा फेरांव
5. कीड बॉक्सर

## ऊ. पाय तियात्रिस्त जुवांव आगोस्तीन फेर्नांडीस तियात्र लेखनाची सर्त:

2000 - 2001 वर्सा सावन अकादेमीन तियात्र लेखनाक उत्तेजन दिवपाच्या उद्देशान 'पाय तियात्रिस्त जुवांव आगोस्तीन फेर्नांडीस तियात्र लेखन सर्त' घेवंक सुरवात केली. सुरवेक ह्या सर्तीतल्या जैतिवंतांक इनामां भेटोवपाची कार्यावळ अकादेमी पाय तियात्रिस्ताच्या जल्मदिसाच म्हळ्यार 28 एप्रील दिसाच घडोवन हाडटाली.

हे सर्तींतले आजवेरचे जैतिवंत अशें:

## 2000 - 2001

| इनाम क्रमांक | तियात्राचें नांव | बरोवप्याचें नांव |
|---|---|---|
| पयलें इनामः | इल्लीशी चूक | श्रीमती शेरोन माझारेलो |
| दुसरे इनामः | अशें एक ल्हार | श्री. आग्नेल फेर्नांडीस |
| तिसरें इनामः | मोरोण | श्री. मायकल ग्रासियस |

## 2001 - 2002

| | | |
|---|---|---|
| पयलें इनामः | कायदो | रमेश बी. एस्. कोमरपंत |
| दुसरें इनामः | सांगाती | मायकल ग्रासीयस |
| तिसरें इनामः | फांतोड | इ. व्ही. डि सिल्वा |

## 2002 - 2003

| | | |
|---|---|---|
| दुसरें इनामः | आमी अशेंच सोंपले | आलेक्स फेर्नांडीस |

## 2004 - 2005

| | | |
|---|---|---|
| पयलें इनामः | भुंयकांप | मार्क द आरावजो |
| दुसरें इनामः | तरसाद | मिनिन मा. आरावजो |
| तिसरें इनामः | त्याग | रमेश कोमरपंत |

## 2005 - 2006

| | | |
|---|---|---|
| पयलें इनामः | भाड्याचो कुसवो | मिनिन मा. आरावजो |
| दुसरें इनामः | तांचें चिंतात तिंवूय मनशां | मारिओ मिनेझीस |

## 2007 - 2008

| | | |
|---|---|---|
| पयलें इनामः | आशिर्वाद | बेनिसियो वितोरीन पेरैरा |
| दुसरें इनामः | मम्मी म्हाका तुजे वेंगेंत धर | आल्बर्ट डि सौजा |
| तिसरें इनामः | फांतोड | आग्नेल एल्. फेर्नांडीस |

## 2008 - 2009

| | | |
|---|---|---|
| पयलें इनामः | दुडवांचो मोग | बेनिसियो वितोरीन पेरैरा |

## 2009 - 2010

| | | |
|---|---|---|
| **पयलें इनामः** | लोकशाय | बेनिसियो वितोरीन पेरैरा |
| **दुसरें इनामः** | कित्याक उपकारता? | जॉकीम गॉमीश |
| **तिसरें इनामः** | कोण तो खुनी? | कॉस्मो ए. पी. रोड्रीगीज |

तियात्र लेखन सर्तींतलें पयलें इनाम फावो जाल्लें हातबरप रोमी लिपयेंतल्यान देवनागरींत लिपयांतर करून पुस्तक रुपान उजवाडावपाची तजवीज येवजणेंत आसा. हे तजवीजेक धरून अकादेमीन फुडलीं पुस्तकां उजवाडायल्यात.

| क्र. | पुस्तकाचें नांव | लेखकाचें नांव | वर्स |
|---|---|---|---|
| 1. | कायदो | आर. बी. एस. कोमरपंत | 2003 |
| 2. | भूंय-कांप | मार्क द आरावजो | 2005 |
| 3. | भाड्याचो कुसवो | मिनिन आरावजो | 2005 |
| 4. | आर्शिवाद | बोनिसीयो वितोरीन पेरैरा | 2010 |

*(कायदो हें पुस्तक 100% अर्थीक पालव दिवन ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशना वरवीं अकादेमीन उजवाडायल्लें आसा.)*

## ए. कोंकणी बालमंच येवजण

2003 हें वर्स सरकारान 'बालक वर्स' म्हण जाहीर केलें. त्या निमतान अकादेमीन खाशेली 'बालमंच' येवजण तयार करून सरकाराक सादर केली. हे येवजणेखातीर सरकारान निधी उपलब्ध करून दितकच 5,6 आनी 7 जानेवारी 2005 ह्या दिसांनी मा. दत्ताराम नाट्यगृह, राजीव कला मंदीर, फोंडें हांगा तांच्या जोडपालवान 'बालनाट्य महोत्सव 2005' घडोवन हाडलो. ह्या महोत्सवाचें उक्तावण नामनेच्यो नाट्य कलाकार श्रीमती अलकाताई वेलींगकार हांचे हस्तुकीं जालें. ह्या वेळार मुखेल अतिथी म्हणून गोंय विधानसभेचे सभापती अॅड. विश्वास सतरकार उपस्थित आशिल्ले. महोत्सवांत फुडलीं नाटकां सादर जालीं:

### बालनाट्य महोत्सव 5, 6 आनी 7 जानेवारी 2005

थळः मा. दत्ताराम नाट्यगृह, राजीव कला मंदीर, फोंडें-गोंय

| क्र. | संस्था | नाटक | लेखक |
|---|---|---|---|
| १. | रूद्रेश्वर, पणजी | कुंडेकुस्कूर | रमेश वेळुस्कार |

| | | |
|---|---|---|
| २. रंगइश्ट, पणजी | ढाम ढूम जुंव्यार | उमेश म्हांबरे |
| ३. वरदांबिका कला संघ, फोंडें | रानमोनी आनी रानधनी | दत्ताराम बांबोळकार |
| ४. विवेकानंद कला सादरीकरण मंच, सत्तरी | इगडी बिगडी तिगडी था | प्रकाश पर्येकार |
| ५. अथश्री, फोंडें | उजवाडाचे उले, सान मनांतुले | पुर्णानंद च्यारी |
| ६. राजमाता पद्मावती राजे सौंदेकर हायस्कूल, बांदोडें | टींग टींग टायटींग | मीना काकोडकार |

(ह्या महोत्सवा निमतान अकादेमीन एक खाशेलें 'कोंकणी बालसाहित्य पुस्तक प्रदर्शन'य घडोवन हाडलें.)

## ऐ. युवा साहित्य संमेलनां:

युवा प्रतिभेक योग्य माची मेळची ह्या हावेसान 1998 वर्सा सावन अकादेमीन 'युवा कोंकणी साहित्य संमेलन' हो वसुर्की उपक्रम आंखलो. हे खातीर खाशेली मार्गदर्शक समिती घडोवन थळाव्या महाविद्यालयांच्या /संस्थांच्या पालवान हें संमेलन अकादेमी आतां दर वर्सा घडोवन हाडटा.

आतां मेरेन वट्ट बारा संमेलनां अकादेमीन घडोवन हाडल्यांत तांचो धांवतो तपशील असो:

### I. पयलें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन:

**दीस:** 12 आनी 13 डिसेंबर 1998

**उद्घाटक:** श्री. दत्ता दामोदर नायक *(कोंकणी लेखक)*

**अध्यक्ष:** श्री. दत्ता दामोदर नायक

**थळावे आयोजक:** सरकारी महाविद्यालय, केपें.

### II. दुसरें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन:

**दीस:** 11 आनी 12 डिसेंबर 1999

**उद्घाटक:** डॉ. अरूणा ढेरे *(मराठी कवयित्री आनी संशोधक)*

**अध्यक्ष:** श्रीमती जयंती नायक

**थळावे आयोजक:** पी.ई. एस्. महाविद्यालय, फोंडें.

### III. तिसरें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन

**दीस:** 9 आनी 10 डिसेंबर 2000

**उद्घाटक:** श्री. तोमाझीन कार्दोज *(तियात्रीस्त)*

**अध्यक्ष:** श्री. पुर्णानंद च्यारी

**थळावे आयोजक:** सारस्वत महाविद्यालय, म्हापशें.

### IV. चवथें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन

**दीस:** 15 आनी 16 डिसेंबर 2001

**उद्घाटक:** श्री. के. पी. रामनुन्नी *(मल्याळी लेखक)*

**अध्यक्ष:** श्री. प्रकाश पर्येकार

**थळावे आयोजक:** सरकारी महाविद्यालय, सांखळी.

### VI. पांचवें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन

**दीस:** 6, 7 आनी 8 डिसेंबर 2002

**उद्घाटक:** श्री. प्रेमानंद गज्वी *(मराठी नाटककार)*

**अध्यक्ष:** श्री. दत्ताराम कामत बांबोळकार

**थळावे आयोजक:** एस्. एस्. आंगले उच्च माध्यमीक विद्यालय, माशें-काणकोण.

### VI. सवें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन

**दीस:** 8 आनी 9 डिसेंबर 2003

**उद्घाटक:** रेव्ह. डॉ. किरीयेल डिसैजा *(कोंकणी पत्रकार)*

**अध्यक्ष:** श्री. संजीव वेरेंकार

**थळावे आयोजक:** सेंट झेवियर कॉलेज, म्हापशें.

### VII. सातवें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन

**दीस:** 28 आनी 29 जानेवारी 2006

**उद्घाटक:** श्री. फाउस्तो डिकॉस्ता *(संपादक आनी कोंकणी लेखक)*

**अध्यक्ष:** श्री. प्रकाश वजरीकार

**थळावे आयोजक:** रोजरी कला आनी वाणिज्य महाविद्यालय,नावेली-साश्ट.

### VIII. आठवें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन

**दीस:** 10 आनी 11 फेब्रुवारी 2007

**उद्घाटक:** श्री. सायमन मार्टीन्स *(कोंकणी लेखक)*

**अध्यक्ष:** श्री. विन्सी क्वाद्रूस

**थळावे आयोजक:** कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय आनी राजीव गांधी कला मंदीर, फोंडें.

## VIX. णवें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन

**दीस:** 16 आनी 17 फेब्रुवारी 2008

**उद्घाटक:** फा. फ्रान्सीस रोड्रिग्स *(पत्रकार-लेखक)*

**अध्यक्ष:** डॉ. माधवी सरदेसाय

**थळावे आयोजक:** फादर आग्नेल महाविद्यालय, पिलार.

## X. धावें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन

**दीस:** 14 आनी 15 फेब्रुवारी 2009

**उद्घाटक:** श्री. जयंत कायकिणी *(कोंकणी आनी कन्नड कवी, गीतकार, नाटककार)*

**अध्यक्ष:** श्री. भालचंद्र गांवकार

**थळावे आयोजक:** नारायण झांटये कॉमर्स महाविद्यालय, दिवचल.

## XI. अकरावें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन

**दीस:** 23 आनी 24 जानेवारी 2010

**उद्घाटक:** श्रीमती नेमीचंद्रा *(कन्नड साहित्यीक)*

**अध्यक्ष:** श्री. दिनेश मणेरकार

**थळावे आयोजक:** सरकारी महाविद्यालय, केपें.

## XII. बारावें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन

**दीस:** 11 आनी 12 डिसेंबर 2010

**उद्घाटक:** श्री. इंद्रनील चक्रवर्ती *(सिनेदिग्दर्शक)*

**अध्यक्ष:** श्री. श्रीधर कामत

**थळावे आयोजक:** एस्. एस्. आंगले उच्च माध्यमीक विद्यालय, माशें- काणकोण.

युवा साहित्य संमेलनाचोच एक भाग म्हण अकादेमीन आदल्या वर्साच्या संमेलनांतलें बक्षीसपात्र साहित्य दुसऱ्या वर्साच्या संमेलनांत **'युवांकूर'** ह्या **पुस्तक** रूपान उजवाडायलं. अशे वट्ट 6 युवांकूर अकादेमीन स्वता प्रकाशीत केल्यात. सातव्या संमेलना **उपरांत ही** जबाबदारी अकादेमीन सह-आयोजक

संस्थेचेर सोंपयली. अकराव्या संमेलन प्रसंगार, युवा संमेलनांतल्यान घडिल्ल्या युवा लेखकांचें दर्जेदार पुस्तक उजवाडावपाचो उपक्रम अकादेमीन सुरू केलो. आतां मेरेन अशीं पुस्तकां उजवाडायल्यांत तीं अशीं:

| | | |
|---|---|---|
| 1. निर्णय *(कथासंग्रह)* | जोफा गोन्सालवीस | अकरावें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन |
| 2. गांवमन *(कथासंग्रह)* | नरेश नायक | बारावें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन |

## ओ. बालमेळावे

भुरगीं हीं समाजाचो फुडार, तांकां योग्य वेळार भास आनी संस्कृतीची वळख जाल्यार फुडाराक तीं बरीं नागरीक जावंक पावतलीं आनी देशाच्या विकासाक हातभार लायतलीं. ह्या हावेसान स्थापनेच्या सुरवेच्या काळार सावन 1996 - 97 मेरेन अकादेमीन प्रार्थमीक आनी पुर्वप्रार्थमीक शाळांच्या विद्यार्थ्यांखातीर आनी शिक्षकांखातीर बालमेळावे आयोजीत केले. श्री. तुकाराम शेट आनी श्रीमती हिरा शेट हीं मुखेल मार्गदर्शक म्हण ह्या मेळाव्यांनी वावुरल्यांत. ह्या मेळाव्यांतल्यान सुमार 700 शिक्षकांक आनी 15,000 भुरग्यांक अकादेमीन कोंकणीचें गिन्यान दिवन प्रशिक्षीत केले.

## औ. बालसाहित्य संमेलन:

भुरग्यांक ल्हान वयाचेरूच लेखन करपाखातीर उर्बा दिवंची आनी तांच्या आंगांतल्या साहित्यीक गुणांची पारखणी करची ह्या हावेसान अकादेमीचे विद्यमान उपाध्यक्ष श्री. विन्सी क्वाद्रूस हांणी बालसाहित्य संमेलनाची कल्पना मांडली आनी अकादेमीच्या वावुरपी मंडळान ती उखलून घेतली. 2009 - 2010 ह्या अर्थीक वर्सा सावन अकादेमीन हो उपक्रम सुरू केलो. आजवेर दोन संमेलनां अकादेमी आयोजीत केल्यांत. ताचो संक्षीप्त नियाळ असो:

### I. पयलें बालसाहित्य संमेलन:

हें संमेलन मडगांवच्या रवींद्र भवनाच्या जोडपालवान अकादेमीन रवींद्र भवनाच्या सभाघरांत 12 डिसेंबर 2009 दिसा घडोवन हाडलें. 6 ते 10 आनी 11 ते 14 अश्या दोन वयोगटांत 'काणी' आनी 'कविता' ह्या दोन प्रकारांत ह्या संमेलनाखातीर अकादेमीन लेखन सर्त आयोजीत केल्ली. वट्ट 200 भुरग्यांनी संमेलनांत वांटो घेतलो.

संमेलनाचें उक्तावण जेश्ट कोंकणी लेखक श्री. दामोदर मावजो हांणी केलें. उक्तावण सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हण फातोड्डेचे आमदार श्री. दामू नायक आनी रवींद्र भवनाचे उपाध्यक्ष श्री. श्रीधर कामत

हे मानाचे सोयरे म्हण आशिल्ले. श्री. हनुमंत चोपडेकार, श्री. संजीव वेरेंकार, श्रीमती रजनी भेंब्रे आनी श्रीमती नयना आडारकार हांणी मार्गदर्शन केलें.

### II. दुसरें बालसाहित्य संमेलनः

हें संमेलन मडगांवच्या रवींद्र भवनाच्या जोडपालवान रवींद्र भवनाच्या सभाघरांत 12 डिसेंबर 2010 दिसा जालें. सुमार 100 बाललेखकांनी हातूंत वांटो घेतलो. 6 ते 10 आनी 11 ते 14 अश्या वयोगटांत 'काणी' आनी 'कविता' ह्या प्रकारांत अकादेमीन सर्त घेतिल्ली. सर्तींतल्या जैतिवंत तशेंच उत्कृश्ट साहित्याचेर ह्या संमेलनांत चर्चा जावन बाललेखकांक मार्गदर्शन जालें. श्रीमती रजनी भेंब्रे, श्रीमती प्रशांती तळपणकार, श्री. रमेश वेळुस्कार, श्री. प्रकाश पर्येकार हांणी ह्या संमेलनांत भुरग्यांक मार्गदर्शन केलें.

संमेलनाचें उक्तावण फा. सिप्रियान द सिल्वा, प्रिन्सिपल, अवर लेडी ऑफ स्नोज हायस्कूल, राय हांणीं केलें.

ह्या समयार पयल्या आनी दुसऱ्या संमेलनांतल्या जैतिवंत साहित्याचें अकादेमीन 'बालांकूर 2010' हें पुस्तकरुपी संकलन उजवाडाक हाडलें.

## अं. कोंकणी टेलीफिल्म/फिल्म निर्मणी येवजणः

कोंकणी टेलीफिल्म / फिल्म निर्मणेक अर्थीक पालव दिवंचो म्हण एक खाशेली येवजण करून अकादेमीन 2000-2001 वर्सा सरकाराक धाडली. उपरांत सरकारच्या अनुदानाप्रमाण ती चालीक लायली. सुरवेक रू. 5 लाखाचो अर्थीक पालव, खंयचेय एक तरी फिल्म पुराय जावचें ह्या हावेसान श्री. सुरेश कुशवा हांच्या 35 एम्. एम्. फिल्माचे अकादेमीन निर्मणेक दिलो. ह्या फिल्माची कथा श्री. पुंडलीक नायक हांणी बरयिल्ली आसून ताचें नांव 'मोनी गवाय' हें आसा.

2002-2003 वर्सा अकादेमीन फुडलीं फिल्मां तयार करूंक अर्थीक पालव दिलोः

| क्र. | संस्था | फिल्माचें नांव |
|---|---|---|
| 1. | नवलक्ष्मी प्रोडक्शन | कोण कोणाचो न्ही |
| 2. | अपुरबाय चित्र | दौलत |
| 3. | बी. व्ही. फिल्म | कोण जबाबदार |
| 4. | त्रिमुर्ती प्रोडक्शन | चक्र |

## अ: अकादेमीचे हेर उपक्रम

### I. अकादेमीचे खाशेले दीस:

4 फेब्रुवारी *(राजभास दिसा)*, 4 मार्च *(अकादेमीचो वर्धापन दीस)* आनी 20 ऑगस्ट *(कोंकणी राष्ट्रमान्यताय दीस)* हे दीस फाटल्या साबार वर्सांसावन अकादेमी दबाज्यान मनयता. ह्या दिसा गंभीर स्वरुपाच्यो तेचपरी मनोरंजनात्मक स्वरुपाच्योय कार्यावळी, तशेंच पुस्तक प्रकाशनां अकादेमीन घडोवन हाडल्यांत. तेच बरोबर अकादेमीक सहकार्य दिवपी चित्रकार, प्रिंटर्स आनी अनुवादकांचोय सत्कार अकादेमीन केला.

### II. राष्ट्रीय तशेंच थळाव्या संस्थांच्या कार्यावळींक पालव:

साहित्य अकादेमी, दिल्ली, नेशनल बूक ट्रस्ट, दिल्ली, भारतीय भाशा संस्थान, म्हैसूर आदी राष्ट्रीय पावंड्यावेल्यो संस्था तशेंच कला अकादमी, कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय, बालभवन-गोंय, कोंकणी सेवा संस्था, आदी संस्थाक परिसंवाद, कृतिसत्रां, व्याख्यानां सारक्यो कार्यावळी आयोजीत करूंक अकादेमीन गरज तो पालव दिला. तशेंच कथा अस्तुरी, त्रिवेणी सारक्यो कार्यावळीय अकादेमीन पुरस्कृत केल्यात. केंद्रीय भाशा संस्थानाच्या पुणे शाखांतल्या कोंकणी विद्यार्थ्यांची आनी कोंकणी लेखकांची भेट-गांठ घडोवन हाडपाच्योय कार्यावळी अकादेमीन केल्यात.

### II. पुस्तक प्रदर्शनां:

फाटल्या साबार वर्सां सावन गोंय तशेंच गोंयांभायर अकादेमीन स्वतंत्रपणान पुस्तक प्रदर्शनां घडोवन हाडल्यांत, तेच बरोबर साहित्य अकादमी, नेशनल बूक ट्रस्ट, इन्स्टीटयूट मिनेझीस ब्रागांझा, साहित्य परिशद हांणी घडोवन हाडिल्ल्या पुस्तक प्रदर्शनांत सहभाग घेतला. 2006 वर्सासावन अकादेमी पुणे शारांत घडपी 'पुणे बूक फेअरांत' वांटो घेता.

### IV. कोंकणी वाचन चळवळ:

वाचन चळवळीक प्रोत्साहन दिवपाच्या उद्देशान गोवा कोंकणी अकादेमीन, गोंयांत कार्यरत आशिल्ल्या मुळाव्या कोंकणी सेवा केंद्राच्या सहकार्यान कोंकणी पुस्तकां विक्री प्रदर्शन केंद्रां सुरू केल्यांत. ही येवजण 2007 - 2008 वर्सा अकादेमीन चालीक लायली. आतां मेरेन णव केंद्रां अकादेमीन सुरू केल्यांत तीं अशीं:

1. वंदना प्रोड्क्शन, बोरी-फोंडें

2. वरदांबिका कला संघ, फोंडें
3. कोंकणी सेवा केंद्र, शिरोडें
4. कोंकणी माची मोगी, सांगें
5. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव
6. कोंकणी सेवा केंद्र, सांखळी
7. विवेकानंद कला सादरीकरण मंच, सत्तरी
8. कोंकणी भाशा आनी संस्कृती प्रतिशटान, मंगळूर
9. कोंकणी वाचन केंद्र, फर्मागुडी-फोंडें.

## IV. साहित्यीकांचे भोवमान:

**अ.** कोंकणींतले ज्येश्ट साहित्यीक आनी अकादेमीचे संस्थापक वांगडी भौ. रवींद्र केळेकार हांकां प्रतिश्टेचो ज्ञानपीठ पुरस्कार लाभिल्ले खातीर तांचो भव्य सत्कार मडगांवच्या रवींद्र भवनांत 15 डिसेंबर 08 दिसा अकादेमीन कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय आनी हेर संस्थांच्या पालवान घडोवन हाडलो.

**आ.** अकादेमीची संशोधन सहायक श्रीमती जयंती नायक हिका केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो 2004 वर्साचो साहित्य पुरस्कार तिच्या 'अथांग' कथा संग्रहाक फावो जाल्लेखातीर तिचो अकादेमीचे वतीन भोवमान केलो.

## VI. अकादेमीच्या पालवान सभाघरांत कार्यावळी:

साबार कोंकणी संस्थांची अकादेमींत यो-वच जावंची आनी ह्या संस्थांकडेन समन्वय जोडून कोंकणीची चळवळ फुडें व्हरूंक हातभार लागचो ह्या हेतून अकादेमीन 2004 - 2005 वर्सा सावन तांच्या साहित्यीक कार्यावळीक आपलें सभाघर वापरूंक दिलां तशेंच कार्यावळीक येवप्यांचो थळावो आदर-सत्कार केला. हे मदीं केंद्रीय भाशा संस्थान म्हैसूर, दामोदर प्रकाशन, वंदना प्रोड्क्शन, बोरी, अपुरबाय प्रकाशन, बिंब प्रकाशन, कोंकणी टायम्स प्रकाशन, जैत प्रकाशन, राजाई प्रकाशन अश्या संस्थांचो आस्पाव आसा.

## VII. अकादेमीचें पुस्तक विक्री केंद्र

2005-2006 वर्सा सावन अकादेमीन आपल्या संकुलांत पुस्तक विक्री केंद्र सुरू केल्लें आसा. कोंकणी भाशेंतल्यान उजवाडाक येवपी सगळीं पुस्तकां एकाच जाग्यार विकती मेळचीं आनी तिवूय पणजी शाराच्या मध्यवर्ती जाग्यार ह्या हावेसान अकादेमीन हें केंद्र सुरू केल्लें आसा. अकादेमीचीं स्वताचीं तशेंच गोंय आनी गोंया भायल्या प्रकाशकांचीं प्रकाशनां, सि. डी., कॅसेटी आदीं अकादेमी हांगा विकूंक दवरता.

ह्या केंद्राक वाचकांकडल्यान खूब बरो प्रतीसाद मेळिल्लो आसा. सरासरी वर्साक 3 लाखांची हांगा विक्री जाता.

## VIII. अकादेमीचें वाचपघर:

वाचपघर ही अकादेमीची म्हत्वाची संपदा. आपल्या स्थापने उपरांत रोकडेंच अकादेमीन ह्या वाचपघराचें मुळावण घातलें. इंग्लीश, हिंदी, कोंकणी, मराठी ह्या भासांतलें लोकवेद, संस्कृती, साहित्य, शिक्षण, समाजशास्त्र, कला, कोशशास्त्र, भासशास्त्र, आदीं विशयावेले म्हत्वपूर्ण अशे संदर्भ ग्रंथ आनी पुस्तकां अकादेमीन ह्या वाचपघराखातीर संग्रहीत केल्लीं आसात. ताचो आंकडो सुमार 7000 आसा. पुस्तकां शिवाय जाग, बिंब, जैत, लामणदिवो, उर्बा, शिल्प, कोंकण टायम्स, उजवाड, गोंयचो आवाज, वावराड्यांचो इश्ट, गुलाब, गोंयचीं किर्णां अशीं नेमाळींय वाचपघराक नेमान घेतात. साहित्यीक दर्जाचे कांय मराठी अंकय आनी कांय म्हत्वपूर्ण सि. डी. – कॅसेटीय वाचपघरांत आसात.

अकादेमीचो सोद प्रकल्प चलोवपी संशोधक, तशेंच हेर मळांचेर वावुरपी संशोधक, अभ्यासक, विद्यार्थी हांकां संशोधन सामुग्री आनी साधनां उपलब्ध करून दिवप हो अकादेमीचो. वाचपघराच्या स्थापने फाटल्यान मुखेल उद्देश आसा.

## अकादेमीचे आजवेरचे अध्यक्ष, उपाध्यक्ष आनी सचिव:

| नांव | कार्यकाळ |
|---|---|
| **अ. अध्यक्ष** | |
| 1. श्री. पुरूषोत्तम काकोडकार | 26/12/1984 ते 7/01/1993 |
| 2. श्री. पुरूषोत्तम काकोडकार | 08/01/1993 ते 24/01/1996 |
| 3. श्री. पुरूषोत्तम काकोडकार | 25/01/1996 ते 01/10/1996 |
| 4. ॲड. उदय ल. भेंब्रे | 18/11/1996 ते 22/11/1999 |
| 5. ॲड. उदय ल. भेंब्रे | 23/11/1999 ते 24/11/2002 |
| 6. श्री. पुंडलिक ना. नायक | 25/11/2002 ते 25/11/2005 |
| 7. श्री. पुंडलिक ना. नायक | 25/11/2005 ते 31/12/2008 |
| 8. श्री. एन्. शिवदास | 01/01/2009 |
| **आ. उपाध्यक्ष** | |
| 1. डॉ. मनोहरराय सरदेसाय | 17/01/1986 ते 18/01/1993 |
| 2. श्री. पुंडलिक ना. नायक | 05/02/1993 ते 05/02/1996 |
| 3. श्री. पुंडलिक ना. नायक | 15/05/1996 ते 19/11/1996 |
| 4. श्री. एन्. शिवदास | 04/01/1997 ते 06/06/2000 |
| 5. श्री. एन्. शिवदास | 07/06/2000 ते 06/04/2003 |
| 6. प्रा. भूषण भावे | 07/04/2003 ते 24/11/2005 |
| 7. डॉ. तानाजी हळर्णकार | 19/04/2006 ते 13/04/2009 |
| 8. श्री. विन्सी क्वाद्रूस | 15/06/2009 |
| **इ. सचीव** | |
| 1. श्री. विष्णू मं. धुमे | 16/12/1985 ते 03/09/1991 |
| 2. श्री. विष्णू मं. धुमे | 19/01/1993 ते 15/05/1996 |
| 3. श्री. शरद दळवी | 23/09/1996 ते 03/09/1999 |
| 4. श्री. श. शा. केशकामत | 01/10/1999 ते 09/05/2000 |
| 5. श्री. जार्ज द्. आब्रेव | 09/05/2000 ते 30/04/2002 |

| | |
|---|---|
| 6. श्री. चार्ल्स डिसौझा | 20/05/2002 ते 31/12/2002 |
| 7. श्री. नारायण श्री नावती | 17/01/2003 ते 30/06/2004 |
| 8. श्री. राजू गांवस | 01/07/2004 ते 10/04/2005 |
| 9. श्री मेल्विन वाझ | 11/04/2005 ते 09/08/2005 |
| 10. श्री. गोपाळकृष्ण पाडगांवकर | 09/08/2005 ते 21/08/2006 |
| 11. श्री. गजानन केनावडेकर | 21/08/2006 ते 30/11/2006 |
| 12. श्री. विकास गावणेकार | 30/11/2006 ते 16/01/2007 |
| 13. श्री ज्योसिनो वाज | 16/01/2007 ते 10/08/2007 |
| 14. श्रीमती मारिया ओ फेर्नांडीस | 10/08/2007 ते 06/11/2007 |
| 15. श्री. गोपाळकृष्ण पाडगांवकर | 06/11/2007 ते 01/04/2010 |
| 16. श्री. फ्रान्सीको टेलीस | 01/04/2010 ते 10/10/2010 |
| 17. श्री. संजीव गडकर | 10/10/2010 |

## अकादेमीर्ची आजवेरचीं साबार मंडळां आनी वावुरपी मडळां:

**1984 ते 1993 अस्थायी समिती** (गोंय सरकारचो आदेश नं.59/26/84-ADM.III/Dev. of Konkani dt. 26/12/1984): हे समितीक उपरांत साबार मंडळाचो दर्जो फावो जालो. ह्याच मंडळाक पयलें साबार मंडळ आनी पयलें कार्यकारी मंडळ मानलां.

1. श्री. पुरूषोत्तम काकोडकार – अध्यक्ष
2. डॉ. मनोहरराय सरदेसाय – उपाध्यक्ष
3. डॉ. व्ही. ए. पै. पाणंदीकार – वांगडी
4. डॉ. के. जे. महाले – वांगडी
5. श्री. जुझे पेरैरा – वांगडी
6. श्री. रवींद्र केळेकार – वांगडी
7. श्री. पांडुरंग भांगी – वांगडी
8. प्रो. रेव्ह. जॉन कुरैय आल्फोंसो – वांगडी
9. डॉ. लुईस वियेगा कुतिन्हो – वांगडी
10. श्री. चंद्रकांत केणी – वांगडी
11. श्री. अ.ना. म्हांबरे – वांगडी
12. श्री. पुंडलीक नायक – वांगडी

### दुसरें साबार मंडळ (1993-1995)

1. श्री. पुरूषोत्तम काकोडकार – अध्यक्ष
2. श्री. पुंडलीक नायक – उपाध्यक्ष
3. श्री. राजू नायक – वांगडी
4. ॲड्. उदय भेंब्रे – वांगडी
5. डॉ. तानाजी हळर्णकार – वांगडी
6. श्रीमती कमलादेवी राव देशपांडे – वांगडी
7. श्री. एन्. शिवदास – वांगडी
8. श्री. फेलिसियु कार्दोज – वांगडी
9. श्री. तोमाझीन कार्दोज – वांगडी
10. श्री. विठ्ठल आवदियेंकार – वांगडी
11. श्री. रामानंद रायकार – वांगडी

12. डॉ. मनोहरराय सरदेसाय - वांगडी
13. श्री. चंद्रकांत केणी - वांगडी
14. श्री. उल्हास पै भाटीकार - वांगडी
15. श्री. एम्. बॉयर - वांगडी
16. श्री. रवींद्र केळेकार - वांगडी
17. डॉ. काशीनाथ जे महाले - वांगडी
18. श्री. रमेश वेळुस्कार - वांगडी
19. शिक्षण सचिव, गोंय सरकार - वांगडी
20. अर्थ सचिव, गोंय सरकार - वांगडी
21. श्री. रघुवीर वेर्णेकार - वांगडी
(अध्यक्ष, माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक गोंय शिक्षण मंडळ)
22. श्री. एम्. व्ही. नायक - वांगडी
(संचालक, कला आनी संस्कृती संचालनालय गोंय सरकार)
23. श्री. विनायक खेडेकार (प्रतिनिधी, कला अकादेमी) - वांगडी
24. प्रतिनिधी, मानव संसाधन विकास मंत्रालय, शिक्षण विभाग, दिल्ली - वांगडी

## तिसरें साबार मंडळ (1996 - 1998)

1. श्री. पुरूषोत्तम काकोडकार - अध्यक्ष
2. श्री. पुंडलीक नायक - उपाध्यक्ष
3. श्री. राजू नायक - वांगडी
4. श्री. एन्. शिवदास - वांगडी
5. श्री. चंद्रकांत केणी - वांगडी
6. डॉ. काशीनाथ महाले - वांगडी
7. डॉ. एम्. एल्. सरदेसाय - वांगडी
8. डॉ. ओलिविन्यु गोमीश - वांगडी
9. श्री. ए. मिस्कीत - वांगडी
10. श्रीमती विनंती कांसार - वांगडी
11. श्री. तुकाराम शेट - वांगडी
12. श्री. नागेश करमली - वांगडी

13. श्री. प्रकाश पाडगांवकार – वांगडी
14. फा. फ्रेडी द कोस्ता – वांगडी
15. प्रा. हरिश्चंद्र नागवेकार – वांगडी
16. श्री. एन्. भटगांवकार – वांगडी
17. श्री. विल्सन माझारेलो – वांगडी
18. श्री. पी. प्रभुदेसाय – वांगडी
19. श्री. रघुवीर वर्णेकार
(अध्यक्ष, माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक गोंय शिक्षण मंडळ) – वांगडी
20. श्री. एम्. व्ही. नायक
(संचालक कला आनी संस्कृती संचालनालय, गोंय सरकार) – वांगडी
21. श्री. परेश जोशी
(अध्यक्ष, माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक गोंय शिक्षण मंडळ) – वांगडी
22. शिक्षण सचिव, गोंय सरकार – वांगडी
23. अर्थ सचिव, गोंय सरकार – वांगडी
24. प्रतिनिधी, मानवसंसाधन विकास मंत्रालय, शिक्षण विभाग, दिल्ली – वांगडी

*(ह्या साबार मंडळाचे 18/11/1996 दिसा सावन ॲड. उदय भेंब्रे हे अध्यक्ष आनी 4/1/1997 दिसा सावन श्री. एन्. शिवदास हे उपाध्यक्ष जाल्यात.)*

## चवथें साबार मंडळ (1999 - 2002)

1. ॲड. उदय भेंब्रे – अध्यक्ष
2. श्री. एन्. शिवदास – उपाध्यक्ष
3. श्री. चंद्रकांत केणी – वांगडी
4. श्री. प्रकाश वझ रीकार – वांगडी
5. फा. फ्रेडी द कोस्ता – वांगडी
6. श्री. विल्सन माझारेलो – वांगडी
7. श्री. सुरेश आमोणकार – वांगडी
8. श्रीमती नयना आडारकार – वांगडी
9. डॉ. किरण बुडकुले – वांगडी
10. श्री. नागेश करमली – वांगडी

11. श्री. दामोदर मावजो – वांगडी
12. श्री. श्रीधर कामत बांबोळकार – वांगडी
13. श्री. रमेश कोमरपंत – वांगडी
14. श्री. अरवींद भाटीकार – वांगडी
15. श्री. सदानंद काणेकार – वांगडी
16. डॉ. ओलिविन्यु गोमीश – वांगडी
17. श्री. एस्. एम्. कृष्णाराव – वांगडी
18. श्री. फेलिसियु कार्दोज – वांगडी
19. श्री. विष्णु वाघ, उपाध्यक्ष – कला अकादेमी – वांगडी
20. श्री. पांडुरंग नाडकर्णी – वांगडी
    (अध्यक्ष माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक गोंय शिक्षण मंडळ)
21. श्री. एम्. व्ही. नायक – वांगडी
    (संचालक कला आनी संस्कृती संचालनालय, गोंय सरकार)
22. शिक्षण सचीव, गोंय सरकार – वांगडी
23. अर्थ सचिव, गोंय सरकार – वांगडी
24. प्रतिनिधी, मानव संसाधन विकास मंत्रालय, शिक्षण विभाग, दिल्ली – वांगडी

**पांचवें साबार मंडळ (2002 - 2005)**

1. श्री. पुंडलीक नायक – अध्यक्ष
2. श्री. भूषण भावे – उपाध्यक्ष
3. श्री. प्रकाश वझरीकार – वांगडी
4. श्री. आंतोन दे पियेदाद – वांगडी
5. श्री. दामोदर मावजो – वांगडी
6. श्रीमती प्रियदर्शिनी तडकोडकार – वांगडी
7. डॉ. तानाजी हळर्णकार – वांगडी
8. श्री. शिरीश पै – वांगडी
9. श्री. कांता गावडे – वांगडी
10. प्रा. अरूण साखरदांडे – वांगडी
11. श्री. झिलू गांवकार – वांगडी

12. श्री. तोमाझीन कार्दोज – वांगडी
13. श्री. श्याम वेरेंकार – वांगडी
14. श्री. भरत नायक – वांगडी
15. फा. प्रताप नायक – वांगडी
16. श्रीमती माधवी सरदेसाय – वांगडी
17. श्री. शशीकांत पुनाजी – वांगडी
18. ॲड. मनोज बांदोडकार – वांगडी
19. श्री. एम्. व्ही. नायक
(संचालक, कला आनी संस्कृती संचालनालय, गोंय सरकार) – वांगडी
20. अध्यक्ष (माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक गोंय शिक्षण मंडळ) – वांगडी
21. सदस्य सचिव– (कला अकादमी (प्रतिनिधी अध्यक्ष/उपाध्यक्ष) – वांगडी
22. राजभास सचिव, गोंय सरकार – वांगडी
23. अर्थ सचिव, गोंय सरकार – वांगडी
24. प्रतिनिधी, मानव संसाधन विकास मंत्रालय, शिक्षण विभाग, दिल्ली – वांगडी

**सर्वे साबार मंडळ (2006 - 2008)**

1. श्री. पुंडलीक नायक – अध्यक्ष
2. डॉ. तानाजी हळर्णकार – उपाध्यक्ष
3. डॉ. चंद्रलेखा डिसौजा – वांगडी
4. श्री. पाव्ल मोराय्स – वांगडी
5. श्री. आनंद मंगेश नायक – वांगडी
6. श्री. आग्नेल फेर्नांडीस – वांगडी
7. श्री. तिवतोनियो डिकोस्ता – वांगडी
8. श्री. अवधूत कामत – वांगडी
9. श्री. प्रमोद महाडेश्वर – वांगडी
10. श्री. भिकू बोमी नायक – वांगडी
11. श्री. तोमाझीन कार्दोज – वांगडी
12. श्री. दामोदर मावजो – वांगडी
13. श्री. एस्. एम्. बोर्जीस – वांगडी

14. श्रीमती मारिया आवरोरा कुटो - वांगडी
15. श्री. मिनीन मार्टीन्स फेर्नांडीस - वांगडी
16. श्री. भूषण भावे - वांगडी
17. श्री. दत्ता दामोदर नायक - वांगडी
18. श्री. प्रकाश वझरीकार - वांगडी
19. श्री. जितेंद्र देशप्रभू (अध्यक्ष, कला अकादमी) - वांगडी
20. अध्यक्ष, माध्यमीकं आनी उच्च माध्यमीक, गोंय शिक्षण मंडळ - वांगडी
21. संचालक, कला आनी संस्कृती संचालनालय, गोंय सरकार - वांगडी
22. राजभास, सचिव, गोंय सरकार - वांगडी
23. अथत्त सचिव, गोंय सरकार - वांगडी
24. प्रतिनिधी, मानव संसाधन विकास मंत्रालय, शिक्षण विभाग, दिल्ली - वांगडी
- वांगडी

**सातवें साबार मंडळ (2009 - 2011)**

1. श्री. एन्. शिवदास - अध्यक्ष
2. श्री. विन्सी क्वाद्रुस - उपाध्यक्ष
3. डॉ. माधवी सरदेसाय - वांगडी
4. श्री. पुंडलीक नायक - वांगडी
5. श्री. गोकुलदास प्रभू - वांगडी
6. श्री. अनील वेर्णेकार - वांगडी
7. श्री. प्रशांत नायक - वांगडी
8. श्री. अजीत केरकार - वांगडी
9. श्री. प्रेमानंद लोटलीकार - वांगडी
10. श्रीमती नूतन साखरदांडे - वांगडी
11. श्री. प्रेमानंद फडते - वांगडी
12. श्री. एस्. एम्. बोर्जीस - वांगडी
13. श्री. दामोदर मावजो - वांगडी
14. श्री. महाबळेश्वर सैल - वांगडी
15. श्री. सतीश दळवी - वांगडी
16. श्री. संजीव वेरेंकार - वांगडी
- वांगडी

17. श्रीमती रजनी भेंब्रे – वांगडी
18. फा. मौझीन्यु आताईद – वांगडी
19. डॉ. पांडुरंग फळदेसाय – सदस्य सचिव, कला अकादमी
(प्रतिनिधी अध्यक्ष/उपाध्यक्ष) – वांगडी
20. श्री. प्रसाद लोलयेंकार
(संचालक, कला आनी संस्कृती संचालनालय, गोंय सरकार) – वांगडी
21. अध्यक्ष, माध्यमीक आनी उच्चमाध्यमीक गोंय शिक्षण मंडळ – वांगडी
22. राजभास सचिव, गोंय सरकार – वांगडी
23. अर्थ सचिव, गोंय सरकार – वांगडी
24. प्रतिनिधी, मानव संसाधन विकास मंत्रालय, शिक्षण विभाग, दिल्ली – वांगडी

## कार्यकारी मंडळां:

### दुसरें कार्यकारी मंडळ

### 1993 - 1994

1. श्री. पुरूषोत्तम काकोडकार – अध्यक्ष
2. श्री. पुंडलीक नायक – उपाध्यक्ष
3. ॲड्. उदय भेंब्रे – वांगडी
4. श्रीमती कमलादेवी राव देशपांडे – वांगडी
5. डॉ. तानाजी हळर्णकार – वांगडी
6. श्री. एन्. शिवदास – वांगडी
7. श्री. चंद्रकांत केणी – वांगडी
8. श्री. रमेश वेळुस्कार – वांगडी
9. शिक्षण सचिव, गोंय सरकार – वांगडी

### तिसरें कार्यकारी मंडळ

### 1996 - 1999

1. श्री. पुरूषोत्तम काकोडकार – अध्यक्ष
2. श्री. पुंडलीक नायक – उपाध्यक्ष

3. श्री. विल्सन माझारेलो – वांगडी
4. श्री. नागेश करमली – वांगडी
5. प्रा. हरिश्चंद्र नागवेंकार – वांगडी
6. डॉ. काशीनाथ महाले – वांगडी
7. फा. फ्रेडी द. कोस्ता – वांगडी
8. श्री. तुकाराम शेट – वांगडी
9. शिक्षण सचिव, गोंय सरकार – वांगडी

**चवथें कार्यकारी मंडळ**

**1999 - 2002**

1. ॲड्. उदय भेंब्रे – अध्यक्ष
2. श्री. एन्. शिवदास – उपाध्यक्ष
3. श्री. नागेश करमली – वांगडी
4. डॉ. किरण बुडकुले – वांगडी
5. श्री. सदानंद काणेकार – वांगडी
6. श्री. फेलिसियु कार्दोज – वांगडी
7. श्री. अरवींद भाटीकार – वांगडी
8. श्री. विल्सन माझारेलो – वांगडी
9. शिक्षण सचिव, गोंय सरकार – वांगडी

**पांचवें कार्यकारी मंडळ**

**2002 - 2005**

1. श्री. पुंडलीक नायक – अध्यक्ष
2. श्री. भूषण भावे – उपाध्यक्ष
3. प्रा. अरूण साखरदांडे – वांगडी
4. डॉ. तानाजी हळर्णकार – वांगडी
5. प्रा. प्रकाश वझरीकार – वांगडी
6. प्रा. प्रियदर्शिनी तडकोडकार – वांगडी
7. श्री. तोमाझीन कार्दोज – वांगडी

8. श्री. दामोदर मावजो – वांगडी
9. राजभास सचिव, गोंय सरकार – वांगडी

## सवें कार्यकारी मंडळ

**2006 - 2009**

1. श्री. पुंडलीक नायक – अध्यक्ष
2. डॉ. तानाजी हळर्णकार – उपाध्यक्ष
3. श्री. तोमाझीन कार्दोज – वांगडी
4. श्री. एस्. एम्. बोर्जीस – वांगडी
5. डॉ. प्रकाश वझरीकार – वांगडी
6. डॉ. मारिया आवरोरा कुटो – वांगडी
7. श्री. भूषण भावे – वांगडी
8. श्री. दत्ता दामोदर नायक – वांगडी
9. राजभास सचिव, गोंय सरकार – वांगडी

## सातवें कार्यकारी मंडळ

**2009 - 2011**

1. श्री. एन्. शिवदास – अध्यक्ष
2. श्री. विन्सी क्वाद्रूस – उपाध्यक्ष
3. श्री. प्रेमानंद लोटलीकार – वांगडी
4. श्री. एस्. एम्. बोर्जीस – वांगडी
5. श्री. दामोदर मावज़ो – वांगडी
6. श्री. महाबळेश्वर सैल – वांगडी
7. श्री. सतीश दळवी – वांगडी
8. श्रीमती रजनी भेंब्रे – वांगडी
9. राजभास सचिव, गोंय सरकार – वांगडी

**अकादेमीचो कार्यभार चलोवपी हात (कर्मचारी):**

| क्र. | कर्मचाऱ्याचें नांव | हुद्दो |
|---|---|---|
| 1. | डॉ. जयंती नायक | संशोधन सहाय्यीका |
| 2. | श्रीमती जिवी जेठाजी | हिशेबनीस (डेप्युटेशनाचेर) |
| 3. | श्री. सुरेश सावंत | उच्च श्रेणी कारकून |
| 4. | श्रीमती मारिया दे. गोन्सालवीस | ज्यु. स्टेनो |
| 5. | श्री. ज्ञानेश्वर नायक | निम्न श्रेणी कारकून |
| 6. | श्रीमती कुमूद नायक | निम्न श्रेणी कारकून |
| 7. | श्री. सेबेस्तियांव आरावजो | ड्रायव्हर |
| 8. | श्री. चंद्रशेखर फडते | ड्रायव्हर |
| 9. | श्री. अजय सावळ | शिपाय |
| 10. | श्री. बलराम च्यारी | शिपाय |
| 11. | श्रीमती प्रतिभा कुलम | झाडूवाली |

(श्री. कमलाकर म्हाळशी हांणी डेप्युटेशनाचेर अकादेमींत येवन 01 फेब्रुवारी 1992 ते 31 डिसेंबर 2002 मेरेन सहायक सचिव म्हण आपली सेवा दिल्या.)




जेश्ट कोंकणी कवी आनी अकादेमीचे पयले उपाध्यक्ष डॉ. मनोहरराय सरदेसाय 'कोंकणी गीत -रचना ' शिबिरांत मार्गदर्शन करतना.





अकादेमीच्या लोकवेद विभागाचे वतीन कु. जयंती नायक हिणें बरयिल्ल्या 'आमोणें-एक लोकजीण' ग्रंथाचें लोकार्पण करतना केंद्रीय साहित्य अकादेमीचे तेन्नाचे सचिव आनी नामनेचे हिन्दी समालोचक प्रो. इंद्रनाथ चौधरी.




केंद्रीय साहित्य अकादेमी आनी गोवा कोंकणी अकादेमी हांणी जोडपालवान घडोवन हाडिल्ल्या कथा - शिबिरांत कोंकणी कथेच्या विंगड विंगड आंगांचेर उजवाड घालतना जेश्ट कोंकणी कथाकार श्री. चंद्रकांत केणी.




गोवा कोंकणी अकादेमीच्या 15 व्या वर्धापन दिनाच्या सुवाळ्यांत उलयतना तेन्नाचे गोंय राज्याचे मुखेलमंत्री भौ. प्रतापसिंह रावजी राणे.




केंद्रीय साहित्य अकादमी आनी गोवा कोंकणी अकादेमीन जोडपालवान घडोवन हाडिल्ल्या 'लेखक तुमचे भेटेक' कार्यावळींत भौ. पी. जी. कामत हांच्या कार्याची वळख करून दितना तेन्नाचे गो. कों. अ. चे अध्यक्ष ॲड. उदय भेंब्रे.




नॅशनल बूक ट्रस्ट, इंडिया गोवा कोंकणी अकादेमी आनी कला अकादेमी हांणी जोडपालवान आयोजीत केल्ल्या 'अणकारावरवीं भाशा - सीमा भेद कार्यावळींत विचार मांडटना नामनेच्यो बंगाली साहित्यीक श्रीमती नबिता देव सेन.




अकादेमीच्या 18 व्या वर्धापन दिसा अकादेमीचे पयले सचिव
श्री. वि. मं. धुमे हांचो अकादेमीन जेश्ट कोंकणी कवी आनी कोशकार
श्री. पांडुरंग भांगी हांचे हस्तुकीं भोवमान केलो.




बोरीच्यान अकादेमी परत पणजे राजधानींत पावली हाची खोस
उक्तायतना तेन्नाचे गोंय राज्याचे मुखेलमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकार.



कोंकणीचे म्हापुरूष शणै गोंयबाब उर्फ वामन वर्दे वालावलीकार
हांचें समग्र साहित्य उजवाडणी प्रकल्पांतल्या तिसऱ्या आनी चवथ्या खंडांचे
लोकार्पण करतना नामनेचे कवी आनी स्वातंत्र्य सैनिक श्री. नागेश करमली.




अकादेमीच्या कोंकणी राष्ट्रमान्यताय दीस कार्यावळींत अकादेमीन
प्रकाशीत केल्ल्या 'गांवरान' आनी 'राजरत्नां' ह्या पुस्तकांचेर उलयतना
नामनेचे समीक्षक आनी सहाय्यक सचिव म्हण साबार वर्सां अकादेमीचो
कार्यभार सांबाळिल्ले श्री. कमलाकर म्हाळशी.



आंतरराष्ट्रीय किर्तिचे न्यूरोसर्जन डॉ. प्रेमानंद रामाणी हांचे उपस्थितींत तांच्या 'ताठकणो' ह्या आत्मचरित्राच्या श्रीमती हेमा नायक हिणें केल्ल्या कोंकणी अणकाराच्या पुस्तकाचें विमोचन करतना गोंय राज्याचे मुखेलमंत्री श्री. दिगंबर कामत.




गोवा कोंकणी अकादेमीन प्रकाशीत केल्ल्या आनी श्रीमती धनश्री जांबावलीकार हिणें ब्रेल लिपींत रूपांतरीत केल्ल्या श्री. पुंडलीक नायक हांच्या 'छुम छुम घुंगरी' ह्या पुस्तकाचें विमोचन करतना समाज कल्याण मंत्री श्री. सुदीन ढवळीकार.



अकादेमीन आयोजीत केल्ल्या पयल्या कोंकणी साहित्य -भाशा सेवा पुरस्कार प्रदान कार्यावळींत साहित्य- प्रतिभा पुरस्कार कोंकणींतले जेश्ट आनी श्रेश्ट साहित्यिक श्री. रविंद्र केळेकार हांकां भेटयतना नामनेचे हिंदी साहित्यिक आनी समालोचक प्रो. नामवर सिंह.




आंतरराष्ट्रीय किर्तिचे शास्त्रज्ञ डॉ. जयंत नारळीकार 'विज्ञान साहित्य' रचनेविशीं कोंकणी लेखकांक मार्गदर्शन करतना.



तियात्र पालकावेले नामनेचे कलाकार श्री. एम् . बॉयर हांका पद्मश्री फाव जातकच अकादेमीचे तेन्नाचे अध्यक्ष श्री. पुंडलीक नायक हांणी खासा तांच्या घरा वचून तांचें अभिनंदन केलें.



कोंकणी भाशेक ज्ञानपिठाचो भोवमान फावो जाला ही बातमी कळटाच, अकादेमीचे अध्यक्ष श्री. पुंडलीक नायक, उपाध्यक्ष डॉ. तानाजी हळर्णकार आनी सचिव श्री. गोपालकृष्ण पाडगांवकार ह्या तिगांयनीय ज्ञानपिठकार श्री. रविंद्र केळेकार हांकां भेटून परबी भेटयली.




धाव्या युवा कोंकणी साहित्य संमेलनाच्या उक्तावण प्रसंगार युवांकुराचें विमोचन, संमेलनाचे उद्घाटक आनी नामनेचे कोंकणी - कन्नड गीतकार, सिने निर्मति आनी नाटककार श्री. जयंत कांयकिणी.




कोंकणी राष्ट्रमान्यताय दीस कार्यावळी निमतान 'कोंकणी फिल्माचो वेव्हार आनी प्रतिसाद' विशयावयल्या परिसंवादांत आपले विचार व्यक्त करतना नामनेचे साहित्यीक श्री. दिलीप बोरकार सांगाताक श्री. विष्णू वाघ आनी अकादेमीचे विद्यमान अध्यक्ष श्री. एन. शिवदास.



अकादेमीच्या 'लेखक तुमचे भेटेक' उपक्रमाखाला हॉली स्पीरीट हायस्कूल, मडगांव संस्थेन घडोवन हाडिल्ल्या कार्यावळींत व्यासपीठाचेर श्री. रमेश वेळुस्कार, श्री. एन. शिवदास, श्रीमती मिना काकोडकार, श्री. दत्ता दामोदर नायक, श्रीमती सुफला गायतोंडे आनी स्कुलाच्यो मुख्याध्यापिका.



पैंगीण - काणकोण हांगा संपन्न जाल्ल्या अकादेमीच्या तिसऱ्या तियात्र महोत्सवाचें पारंपारीक दिवली पेटोवन उक्तावण करतना जेश्ट तियात्र कलाकार श्री. सांतान कार्दोज.



गोवा कोंकणी अकादेमीन अंत्रूज ललीतक संस्थेच्या जोडपालवान
बांदोडें - फोंडे हांगा घडोवन हाडिल्ल्या 19 व्या कोंकणी नाट्य महोत्सवाच्या उक्तावण
समयार माहिती पुस्तिकेचें विमोचन करतना समाज कल्याण मंत्री श्री. सुदीन ढवळीकार.



गोवा कोंकणी अकादेमी आणि रवींद्र भवन, मडगांव हांणी जोडपालवान
आयोजीत केल्ल्या दुसऱ्या बालसाहित्य संमेलनाचें दिवली पेटोवन उक्तावण करतना
अवर लेडी ऑफ स्नोज हायस्कूल, राय संस्थेचे प्रिन्सीपल फा. सिप्रीयान द सिल्वा.




गोवा कोंकणी अकादेमीचे विद्यमान अध्यक्ष श्री. एन. शिवदास, अकादेमीचे माजी अध्यक्ष आनी नामनेचे साहित्यीक श्री. पुंडलीक नायक हांकां गोमन्त शारदा पुरस्कार फावो जाल्लेखातीर परबी भेटयतात. सांगाताक अकादेमीच्या कार्यकारी मंडळाचे एक वांगडी श्री. सतीश ढळवी.



कुवेटांत जाल्ल्या विश्व कोंकणी संमेलनांत कुवेटांतले भारताचे राजदूत श्री. विजय मल्होत्रा हांकां एके कार्यावळीत कोंकणी पुस्तकांचो संच भेटयतना अकादेमीचे विद्यमान अध्यक्ष श्री. एन. शिवदास आनी उपाध्यक्ष श्री. विन्सी क्वाद्रुस.



अकादेमीच्या कर्मचाऱ्यां वांगडा
अध्यक्ष श्री. एन. शिवदास आनी सचिव श्री. संजीव गडकर.



गोवा कोंकणी अकादेमीचे विद्यमान अध्यक्ष श्री. एन. शिवदास
आपल्या कामात मग्न आसतना.



“ तियात्राची शंबरी” कार्यावळीचें दिवली पेटोवन उक्तावण करतना
तेन्नाचे कायदोमंत्री श्री. लुईझीन फालैर.

“ कोंकणी भाशेची उदरगत जावची, तिचें साहित्य चंवरून फुलचें आनी त्या साहित्यांतल्यान गोंयचे संस्कृतीचें दर्शन घडचें, विद्येच्या मळावेल्या सगळ्या शास्त्रांचें ज्ञान जाता तितले बेगीन कोंकणींत हाडचें, तत्वज्ञान धरून विज्ञानामेरेनचें शिक्षण दिवपाची तांक कोंकणीक येवंची, संवसारांतल्या व्हड भाशांतलें तेच परी भारतीय भाशांतलें अभिजात साहित्य कोंकणींत भाशांतरीत जावचें आनी त्या साहित्यांतल्यान कोंकणी साहित्याक ऊंच पावंड्याची देख मेळून ताका एक नवी दिशा प्राप्त जावंची, देखून गोवा कोंकणी अकादेमीची स्थापना जाल्या.”

• • •

*" The Akademi aims at bringing about speedy development of the Konkani language, literature and culture and also at promoting cultural unity of this State through Konkani language and literature."*

• • •


**Goa Konkani Akademi**

**243, Patto Colony, Panaji, Goa**
**Tel.: (0832) 2437920 / 2437385/ 87**
website : www.goakonkaniakademi.org
Email : goa.konkani@yahoo.com


Printed at : Swarnamudra Prints, Marcel - Goa Ph.: 2288077